माटोळी

संपादक
भूषण भावे

माटोळी

एक गिरेस्त दायज

-माटवी-माटी म्हळ्यार चवथी
णपतीच्या मुखार वयर पाश्टाक
ले लाकडी चौकटीक विधीपूर्वक
ी फळफळावळ. कांय फळां,
आनी रानवटी फळफळावळ
क परंपरेन बांदपाची चाल
णान गोंयांत आनी उर्वरीत
ांत आसा. वेवसायीक वा घरगुती
ी, वखदी वा विखारी
ळावळ माटोळेक बांदतात.

ाटोळी म्हळ्यार निसर्गपुजा.

सैमाचे सृजनतायेक
नशाची सौंदर्यात्मक सलामी.

सैमाचे निर्मिती-क्षमतेचो
मनशान केल्लो भौमान.

सहजीवन आनी साहचर्य
हांची देख.

निसर्गांतल्या मानव-उपेगी
घटकांची घेतिल्ली दखल.

पर्यावरण राखणेविशींचो
पुर्वजांचो मूलमंत्र.

धर्म आनी विज्ञान
हांचो सहजसुंदर मेळ.

ीपुजन म्हळ्यार मातयेची पुजा
र 'माटोळी' म्हळ्यार मातयेचे
क्तीची पुजा.

तकांत माटोळेचें धर्मीक,
ीक, वैजकी, वनस्पतीशास्त्रीय,
यीक आनी कलात्मक नदरेन
ल्लें म्हत्व आनी संबध्दताय
न दिवपाचो यत्न केला.

मोल रू. 600/-
Price Rs. 600/-

माटोळी

एक गिरेस्त दायज

संपादक

भूषण भावे

संकलक

दिलीप पालसरकार

पी ई एस् चें

श्री. रवी सीताराम नाईक कला आनी विज्ञान महाविद्यालय

फर्मागुडी, फोंडें - गोंय - 403 401.

Every Plant / Creeper is a
Chemical factory;
using soil, water and air
as raw material;
working on solar energy;
producing food and wood;
and in the process......
instead of adding to the pollution,
reducing it.*

**यन्तु नद्यो वर्षन्तु पर्जन्याः ।
सुपिप्पला ओषधयो भवन्तु ।
अन्नवतामोदनवतामामिक्षवताम् ।
एषां राजा भूयासम् ।। ****

(न्हंयो व्हावूं दी. पावस पडूं दी.
रूखांक कोमरी-आंकरी फुटूं दी.
सगली रूखावळ अन्न, रस आनी सत्व
हांणी उपाट भरूं दी. आनी
ह्या सगल्यांचो म्हाका लाब मेळूं दी)

O Lord
Let the rivers flow;
the rains shower,
and the vegetation be -
full of food, juice, nutrition,

** Prof. Bal Apte* ** उपनिषद

माटोळी

एक गिरेस्त दायज

संपादक
भूषण भावे

संकलक
दिलीप पालसरकार

छायाचित्रां
अभय जोशी

मुखपृष्ठ आनी भितरली मांडावळ
दिलीप दि. धामस्कार

मुखपृष्ठ छायाचित्र
जगदीश वेरेंकार

माटोळी

चवथीवेळार गोंयांत वापरतात
ते फळफळावळीचो संस्कृतीक-
वनस्पतीशास्त्रीय अभ्यास

कोंकणी

प्रकाशक
डॉ. अनिल डिंगे
प्राचार्य
पीईएस् चें श्री. रवी सीताराम नाईक
कला आनी विज्ञान महाविद्यालय
फर्मागुडी-फोंडें-गोंय - 403 401.

प्रकाशन क्र. 01

हक्क
© भूषण भावे

पयली आवृत्ती
डिसेंबर, 2005

प्रती : 1000

मोल रू. 600/-

ह्या पुस्तकाक
वसंतराव धेंपो एज्युकेशन अँड रिसर्च फाऊंडेशन
धेंपो हाऊस, पणजी-गोंय.
हे संस्थेकडल्यान प्रकाशनाखातीर
अर्थीक पालव मेळ्ळा.

Note : The information provided in this book is of purely academaic interest. Practice and usage should be under appropriate expert supervision only.

Matoli

An ethnobotanical study of
flora used during
Ganesh Festival in Goa.

Konkani

Publisher
Dr. Anil Dinge
Principal
PES's Shri. Ravi Sitaram Naik
College of Arts & Science
Farmagudi Ponda Goa 403 401

Publication No. 01

Copy Rights :
© Bhushan Bhave

First Edition
December, 2005

Copies : 1,000

Price : Rs. 600/-

This book has received financial assistance
for publication from
Vasantrao Dempo Education & Research Foundation
Dempo House, Panaji-Goa.

All rights reserved. Any part of the content of this book may be used for social / academic / research purpose, with the prior permission of the publisher.

अर्पण

झांकफळां खावन झांकपी

आनी

हांसाळे खावन हांसपी

सगल्यांक.....

तशेंच

शरीरे जर्जरीभूते व्याधिग्रस्ते कलेवरे
औषधं जान्हवी तोयं वैद्यो नारायणो हरिः ।

अशें म्हणून सकाळींफुडें कोडू वखद पिवपी

जाण्टेल्यांक......

Ponda Education Society's
Shri. Ravi Sitaram Naik
College of Arts & Science
Farmagudi-Ponda, Goa - 403 401.

डॉ. अनिल डिंगे
प्राचार्य

दोन उतरां

जंय जंय चवथीक घरांत गणपती पुजपाची प्रथा आसा, थंय थंय गणपती बसयतात ते सुवातीवयर 'माटोळी' बांदपाची पद्धत दिश्टी पडटा. माटोळी सजयल्याबगर घरांत गणपती हाडनात. माटोळेक तरतरेचीं जंगलीं फळां - फुलां बांदतात, आंब्याचे आनी हेर पानांचे टाळे बांदतात, खावपाचीं फळां बांदतात. हे पद्धतींतल्यान मनशान सैमाकडेन आपलें नातें दवरिल्लें आसा.

आरास करपाची पद्धत म्हण चलत आयिल्ले हे प्रथेची म्हायती पुंजावपाचो मोलादीक वावर आमच्या कांय विद्यार्थ्यांनी प्रा. भूषण भावे हांच्या मार्गदर्शनाखाला केला. तो पुस्तक रूपान आमी उजवाडायतात.

माटोळेचो अर्थ आनी म्हत्व ह्या पुस्तकांत सांगलां. माटोळेक बांदतात त्यो फळफळावळी आनी वनस्पतींची म्हायती हातूंत दिल्या.

हें पुस्तक उजवाडावपाक 'वसंतराव धेंपो एज्युकेशन अँड रिसर्च फाऊंडेशन' हे संस्थेन आर्थिक पालव दिला ते बद्दल हांव तांका देव बरें करूं म्हणटां.

पी ई एस् चे श्री. रवी सीताराम नाईक महाविद्यालयाचें हें पयलेंच प्रकाशन, देखून हे खोशयेंत भर पडटा.

मनशाच्या सांस्कृतिक दायजाबद्दल म्हायती दिवपी साहित्यांत हें पुस्तक मोलादीक भर घालतलें अशी हांव आस्त बाळगितां.

Vasantrao Dempo Education and Research Foundation
Dempo House, Panaji, Goa - 403 001.

Shrinivas V. Sinai Dempo
Trustee

Foreword

As you know Goa is a small State on the West Coast of India. But its size is not a hindrance to the art and artistry of Goans. Goa is described as the land of Lord Parashurama, the sixth avatar of Lord Vishnu, and is the homeland of several religious communities living in harmony, as reflected in its rich and varied cultural heritage.

"Matoli" is a book which provides an insight into the usage of locally available flowers and fruits offered to Lord Vinayaka or Ganapati on the occasion of "Ganesh Chaturthi". This amply reflects the identification of devotees with the Lord on the one hand, and with Nature on the other, which in totality are described as "Sristi" (सृष्टी).

The book aims to provide the reader with a broad view of the culture of Goa along with valuable information about plant life which is offered in the form of "Matoli". This offering of the Matoli is an integral part of Hindu ceremony during the celebration of "Ganesh Chaturthi" in the Hindu calendar month of Bhadrapada Shukla Chaturthi. (fourth day of the brighter half in the month of Bhadrapada soon after the end of Shravan).

"Matoli" is a worthy piece of work involving a great deal of research and field-studies, upon which, I compliment its editor Prof. Bhushan Bhave and his team on their efforts in bringing out this valuable information in the form of a book.

The presentation is in a simple and lucid style with lots of photographs and, being multilingual, is the best example of the interdisciplinary approach to studies. I hope that the book will heighten awareness of Goan Hindu culture in the country and abroad.

A noteworthy feature of the book is a systematic and scientific classification of plants found in the region and used in the Matoli, which makes this book not only a literary work but a scientific compilation.

ऋणनिर्देश

'माटोळी' ह्या विशयाची संकल्पना १९९४ वर्सा प्रा. बाळ विष्णू आपटे हांचे वांगडा जाल्ले चर्चेतल्यान रूजली. आयज २००५ वर्सा पुस्तक रूपान ती वाचप्यांमुखार येता.

पी ई एस् महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान हो प्रकल्प प्राचार्य डॉ. अरूण हेबळेकार हांच्या प्रोत्साहनान घेतिल्लो. दिलीप पालसरकार आनी अमरेश तळावलीकार हांणी सुरवेक कांय फळफळावळीचें संकलन केल्लें. माटोळेचे हे फळफळावळीचें एक प्रदर्शन लेगीत त्यावेळार महाविद्यालयांत घडोवन हाडिल्लें.

फुडें वावराक पुर्णताय हाडपाचे नदरेन दिलीप पालसरकार हाच्या आदारान पुराय गोंयचे माटोळेचें सर्वेक्षण केलें. गोंयांतले 'माटोळेचे' बाजार उस्तिले. श्रावण-भाद्रपदांत कितलेशेच दोंगर आमी छायाचित्रकार अभय जोशीक घेवन माड्डिले. जायत्या जाणकारांक मेळून फळफळावळीची माहिती मेळयली.

ह्या वावरांत जायतीं आडमिळीं आयलीं. माटोळेच्या बाजारांत हे फळफळावळीचो वेवसाय करपी चडश्या जाणांक ही फळां खंयचीं ? तांचें नाव कितें ? झाड कसलें ? उपेग कितें ? हांचेविशीं कांयच माहिती ना म्हणपाचें दिश्टी पडलें. कितें काय म्हण विचारल्यार 'माटोळेचेंच फळ तें ' - अशी जाप मेळटाली. खबरापत्रांनी माहिती धाडपाविशीं आवाहन केलें, ताकाय व्हडलोसो प्रतिसाद मेळूंक ना.

पूण चवथीवेळार उजवाडाक आयिल्ल्या विशेषांक वा पुरवणेंतल्यान जायती माहिती मेळ्ळी. तातुंतल्यानूच श्री. रमेश विश्राम राणे हांची भेट घडली. तांचेकडले माहितीक लागून पुस्तकांतले मराठी माहितींत जायती भर पडल्या. तशेंच 'आयताराची पूजा' ह्या विशयांत श्री. विश्राम गांवकार हांणी विशेष मदत केल्या. श्री. जगदीश वेरेंकार हांचे सारक्या हंशी 'माटोळी-मोगी' कलाकाराचे माटोळेंतल्यानय जायती उर्बा मेळ्ळी.

ह्या वावराक पुस्तकरूपान उजवाडावंक ६-७ वर्सां लागलीं. जायत्याजाणांनी मदतीचे हात फुडें केले, पूण भोवरंगी छपाई आशिल्ल्यान छापणावळीचें मोल खूब जातालें. निमणे तेन्नाचे मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकार हांकां प्रकल्प दाखयलो. प्रकल्पाचें महत्त्व जाणून घेवन ताणी ह्या विशयांत श्री. श्रीनिवास धेंपे हांचेकडेन उतर घालें.

भौ. श्रीनिवासबाबाक प्रकल्प (लेख आनी फोटे) मांडून दाखयतकीच, तांणी खिणाचोय कळाव करीनासतना पुस्तकाचे छापणावळीचो खर्च उबारपाचें उतर दिलें. तांच्या अर्थीक पालवाक लागुनच हें पुस्तक आयज उजवाडाक आयलां.

हें पुस्तक म्हळ्यार ह्या विशयांतलें १००% गिन्यान अशें म्हणूंक जावंचेंना. माहिती पुंजावपाच्या, एकठांय मांडपाच्या, विश्लेशणाच्या वा हेर बाबतींत कांय मर्यादा पडिल्ल्यो आसूं येतात.

ह्या पुस्तकांत माटोळेंतले फळफळावळीचे वखदी गुणधर्म वा हेर उपेग सांगल्यात. ही माहिती सर्वेक्षणांतल्यान मेळिल्ली आसली तरी वैजकी सल्ल्याबगर आनी संशोधनाबगर कोणेच हे फळफळावळीचो वैजकी वा हेर उपेगाखातीर वापर करचो न्हय ही सुचोवणी.

गोंयांतले एके गिरेस्त परंपरेची वळख घडोवपाची आनी तिचे राखणेची नदर वाचप्यांमुखार दवरपाची संद मेळिल्ल्यान, ह्या वावरांतल्यान मनाक समादान लाबलां. माटोळेचें हें 'वजें' उबारूंक जांणी-जांणी हातभार लायला, त्या सगल्यांक काळजांतल्यान देव बरें करूं. ह्या पुस्तकाक विज्ञानीक बसका मेळोवन दिवपाचे नदरेन वनस्पतीशास्त्रीय माहिती दिवपी डॉ. एम्. के. जनार्दनम् (वनस्पतीशास्त्रविभाग, गोंय विद्यापीठ), तशेंच डॉ. कस्तुरी देसाय (पी ई एस् महाविद्यालय), हांचे ऋण हांव मानतां.

पुस्तकाचे निर्मितींत महत्वाच्यो सुचोवण्यो केल्लेखातीर डॉ. नंदकुमार कामत हांचे विशेष उपकार. ह्या पुस्तकांत लेख बरयिल्ल्या जाणकारांचेय उपकार.

पी ई एस् चे श्री. रवी सीताराम नाईक महाविद्यालयाचे प्राचार्य, वेवस्थापन, म्हजे वांगडी शिक्षक हांच्या फाटबळाखातीर तांका धन्यवाद. माटोळेभशेन आकर्शक मुखपृष्ठ, मांडावळ आनी निर्मितीखातीर श्री. दिलीप धामस्कार तशेंच वेधक छायाचित्रांखातीर श्री. अभय जोशी हांकां दिनवासतां. म्हज्या आनी दिलीप पालसरकार हांच्या घरच्यांनी, आमी ही 'माटोळी' बांदतना दिल्ल्या आदाराखातीर, तांचे काळजांतल्यान उपकारी आसात.

हें पुस्तक छापता आसतनाच, गोंय सरकारान पयलेच फावट राज्यस्तरीय 'माटोळी सजावट सर्त' जाहीर केली. धेंपे उद्योगसमूहासारके उद्देगीक संस्थेचो अर्थीक पालव आनी उपरांत ही 'राजमान्यताय'. समाजीक मान्यतायेक सरकारी मान्यताय मेळ्ळी जाल्यारूच 'माटोळी' सारकी परंपरा जिवीत उरतली.

वाचप्यांक हो, कोंकणी - मराठी - इंग्लीश त्रैभाशीक वावर मानवतलो अशी आस्त बाळगितां.

भूषण भावे
संपादक

मांडावळ

संपादकीय 1

संकलकाचें मनोगत 7

माटोळी-माटवी- प्रा.बाळ आपटे 9

Ecological significance of Ganesh Chaturthi 11
- Bernadette Maria Gomes

Matoli - Celebrating Floral Diversity 13
- Dr. Kasturi Desai

माटोळेंतली फळफळावळ 15

1. अर्जुन 17
2. अणस 18
3. आग्रां 19
4. आनयाचीं फळां 20
5. आंबली 21
6. आंबाडे 22
7. आंब्या-ताळो 23
8. आमटीं 24
9. आसाळे 25
10. ईडलिंबू 26
11. उरफाटे कांटयेचीं फळां 27
12. उशीकांडो 28
13. अंजीर 29
14. कणंगां 30
15. करडी 31
16. करमल 32
17. करमल (रानवटी) 33
18. कवंडाळें 34
19. कांगल्यो 35
20. कारवां 36
21. कारांदो 37
22. काळ्यागोंड्याचीं फळां 38
23. किल्ल........ 39
24. कुड्डूक 40
25. कुसडेचीं फळां 41
26. केवणीचे दोर 42
27. केळ्यां-घड 43
28. कोयतेवाल 44
29. गेळफळां 45
30. गोकर्णीची सांग 46
31. घागऱ्यो 47
32. घोटीफळां 48
33. घोसाळें 49
34. चाफ्याचीं फळां 50
35. चिकू 51
36. चिड्डो 52
37. चिबूड 53
38. चिरको 54
39. जगमां 55
40. जायफळ 56
41. जिरमुलो 57
42. टिपलूस 58
43. डाळिंब 59
44. तट्टमाडयेची सुपारी 60
45. तवशें 61
46. ताम्हण 62
47. तिळीं 63
48. तुट्टूट्टां 64
49. तेफळां 65
50. तोरींग 66
51. द्राक्षां 67
52. दुदी 68
53. नवें 69
54. नागुलकुडो 70
55. नाण्याचीं फळां 71
56. नारींग 72
57. नाल्ल 73
58. नाल्लपेंडी 74
59. नाल्ल (किनारी) 75
60. नाल्लबोंडे 76
61. नीरपणस 77
62. पडवळ 78
63. पडोळेची सांग 79
64. पणस 80
65. पातपणस 81



66. पेर 82
67. पोपाय 83
68. फागलां 84
69. फिरशेलीं 85
70. बणकीचें फळ 86
71. बदाम 87
72. बाभळीचीं फळां 88
73. बेलफळ 89
74. बोणकाळी 90
75. भिल्लमाडाचीं फळां 91
76. भेकरे 92
77. मको 93
78. मस्कासांग 94
79. माट्टां 95
80. मावळींग 96
81. मोगें 97
82. मोसंबी 98
83. रानदोडगीं 99
84. रानभेंडे 100
85. रानवायंगीं 101
86. रानहळद 102
87. रामरखेचीं फळां 103
88. लिंबू 104
89. वज्रमूठ 105
90. वर्सभोगी 106
91. वाग-चपको 107
92. वायंगें 108
93. वाल 109
94. शिरमंडोळेचीं फळां 110
95. शमी 111
96. शेरवडां 112
97. सतफळ 113
98. सफरचंद 114
99. सीताफळ 115
100. सुपारी 116
101. हड्डें 117
102. हर्ने 118
103. हरपुलें 119
104. हळडीफूल 120

चित्रमय माटोळी 121

माटोळेचो बाजार 123

माटोळेक फळफळावळ सोडून हेर जिन्नस 126

चवथ सोडून हेरकडेन माटोळी 127

माटोळेंतले फळफळावळीचे प्रकार/उपेग 128

माटोळेंतले फळफळावळीच्या झाडांचे प्रकार/उपेग/ जावपाची सुवात 132

श्रावणांतले आयतार 136
- संदीप वेरेंकार, रोशन कुडाळकार

आयताराचे पुजेंतली वनस्पत

1. आयताराचें पुजप 138
2. म्हातारेचीं बोंदरां 138
3. कावळ्याचे फोव 139
4. सीतेचें काजळ कुंकूम 139
5. सीतेची तिकली 140
6. सोंश्याचे कान 140
7. कावळ्याचो दोळो 141
8. घोड्याचीं पावलां 141
9. बिंबलो 142
10. तबकडी 142
11. भिल्लमाड 143
12. घोड्याची जिबली 143
13. सत्री 144
14. पारजताचीं फुलां 144
15. हुंदराचे कान 145
16. लज 145
17. रामाचीं बोटां 146
18. रामाचीं पावलां 146

धर्मीक कार्य आनी वनस्पत 147

संदर्भावळ 149

उपकार 150

संपादकीय

भूषण भावे

पुराय कोंकणपट्टेंत चवथीच्या - गणेश चतुर्थीच्या उत्सवाक भोवच महत्व आसा. हे परबेक गोंयांत 'गणेशचतुर्थी' अशें म्हणनासतना फकत 'चवथ' अशें तिथीवाचक नांव आसा. कांयकडेन हे परबेचो 'गणेस' असो इतलोच उल्लेख जाता. गोंयांतले चवथीक 'सण' म्हणचें काय 'उत्सव' असो प्रस्न पडटा. घराघरांत कुटुंबापुरती गणेशाची पुजा जाता, म्हण एकेवटेन 'चवथ' हो सण. पूण दुसरेवटेन आरत्यो (चड करुन घुमटावेल्यो) आनी एकामेकांक मेळप, एकामेकागेर वचप अशा सामुहीक सहभागाखातीर 'चवथ' म्हळ्यार उत्सव. हे परबेक उत्साह आसता तो एखादल्या उत्सवाइतलोच. चवथीवेळार गोंयकार जे संख्येन आनी जे उमेदीन घोळटात, तितले संख्येन आनी उमेदीन शिगम्यावेळार लेगीत घोळनात. हाचें कारण हो उत्सव समेस्तांचो. ल्हान व्हड, भुरगीं-जाण्टीं, चलयो-बायलो, आंकवार-विधवा , गरीब-गिरेस्त सगल्यांक ही परब आवडटा-मानवता आनी देखून सगल्यांक हे परबेंत सुवात आसा-वावर आसा. गोंयकार कुटुंबांमदीं इतली घुसळण हेर सणापरबांनी जायना. देखून चवथ म्हळ्यार 'सणोत्सव'.

सार्वजनिक गणेशोत्सवाची परंपरा कोंकणपट्टेंत हालींच सुरु जाल्या. तातूंत नेट आसाच. पूण त्यापरस चड 'चवथ' हो दरेका कुटुंबाचो-घराघराचो, आनी घरांतले दरेके व्यक्तीचो उत्सव आशिल्ल्यान 'चवथीची ' अपुरबाय चड. गोंयांतली हिंदू संस्कृताय राखपाचें आनी तिगोवन दवरपाचें मुखेल कार्य, परकी राजवटींत गोंयांतले हे चवथीचे परबेन केलां. 'चवथ' हो हिंदुत्वाकडेन ओडपी 'दुवो' आशिल्लो देखुनूच पोर्तुगेजांनी घराघरांत जावपी हे गणेशपुजेचेर बंदी घातिल्ली. पोर्तुगेज पाद्रींनी गोंयांत येतकीच क्रिस्तांव धर्माचो प्रचार आनी प्रसार करपाखातीर कांय धार्मिक-साहित्य मराठी-कोंकणींतल्यान रचलें. तातूंत तांणी ज्या हिंदू देवदेवतांचो उपहास केला आनी ज्यांच्यो भगल्यो-फकाणां मारल्यांत, तातूंत गणपतीचो आस्पाव चड प्रमाणांत आसा. 'गणपती' हो गोंयांतल्या साबार आर्थिक-सामाजिक-सांस्कृतिक थरांतलो आनी साबार पिराय-गटांतल्या आनी लींग-गटांतल्या मनशांचो अपुरबायेचो 'देव' आशिल्ल्यान, तांच्या मनांत ताचेविशीं आशिल्लो आदरभाव आनी भक्तीभाव उणो करप पाद्रींचे नदरेन गरजेचें आशिल्लें. ख्रिस्तमत-स्थापनेखातीर हांगाचे प्रजेच्या मनांतल्यान गणेशाविशींची भक्ती, प्रेम आनी विस्वास ना करपाखातीरच,

'कोंकण्या-देव गणपती
दर्यांत बुडल्यार जाता माती...... जाता माती'

हीं आनी अशेतरेचीं जायतीं उपहासात्मक कवनां नवक्रिस्तावांच्या तोंडांत पोर्तुगेज पाद्रींनी रुढ केली. पूण बंदी आनी निर्भत्सना हांच्या कालखंडात लेगीत गणेशाची उपासना आनी गणेशोत्सव हातूंत गोंयकारांनी खंड पडूंक दिवंक ना. पोर्तुगेजांचो शेक नाशिल्ल्या वा तांच्या धार्मिक छळाचो जांच कमी आशिल्ल्या नव्या व्याप्त वाठारांनी (new occupancies) गोंयकार स्थलांतरीत जाले आनी थंय तांणी चवथ थाटामाटांत मनोवपाक सुरवात केली. जे लोक पोन्न्या व्याप्त वाठारांतच (old occupancies) रावताले (जांकां रावंचे पडलें) तांणी पोर्तुगेज सोल्दादांची नदर चुकोवपाखातीर पेटयेच्या वा ट्रंकाच्या दाराक भितरले वटेन गणपतींचें चित्र काडून वा चित्र लावन (मुर्तीपुजेक बंदी आशिल्ली देखून) गणेश पुजूंक सुरवात केली. पुजा जातकीच पेटी बंद केली काय कोणाक दुबाव येवपाचो नाशिल्ल्यान हुस्को-भंय नाशिल्लो. आयज लेगीत काणकोण, पैंगीण, केपें ह्या वाठारांनी पत्रीचो गणपती पुजपाची चाल आसा. ही पत्रीपुजा एकतर मुर्तीपुजे आदले संस्कृतायेचे अवशेश आसूंक जाय वा पोर्तुगेज काळांतल्या धर्मछळांतल्यान वाटावपाखातीर काडिल्लो पर्याय आसूंक जाय. दोंगरावयली पत्री एकठांय करुन पुजा करप आनी

कोणाचींय पावलां वाजल्यार देवाचो आकार दिल्ली पत्रीची मांडावळ म्होडप. अश्यो चित्ररुप (कागदी) वा पत्रीरुप गणेसपुजा आजुनय अवशेशरुपांत गोंयांत चलतात. पोर्तुगेजांनी मुर्ती पुजेचेर घातिल्ले बंदीक लागून मुर्तीकाम -शिल्पकाम करपी कलाकारांच्यो पिळग्यांच्यो-पिळग्यो परागंदा जाल्यो-देशोधडीक लागल्यो.

मुर्ती निर्माणाची कला जिती दवरपी मूर्तीकारांच्या स्थलांतरणाचो इतिहास तपासून पळोवपाची गरज आसा, तेच प्रमाण पेंड-पनवेल आदी उत्तर- कोंकणांतल्या वाठारांनी मुर्तीकार -कलाकारांची दाटी कित्याक, कशी आनी केन्नाच्यान जाल्या हाचोय सोद घेवपाची गरज आसा. तसो सोद घेतकीच पोर्तुगेज काळांतले मूर्तीपुजाबंदीचेर आनी धर्मच्छळाचेर चड उजवाड पडटलो. फकत मुर्ती घडयली म्हण वा मुर्ती पुजली म्हण जायत्या जाणांक इन्क्विजिशनाच्यो मनीसपणाभायल्यो ख्यास्ती (?) भोगच्यो पडल्यो. पूण इतलें आसुनूय हांगाच्या चिवट हिंदू समाजान गणेसपूजा सोडूंक ना आनी चवथ मनोवपाचें बंद करुंक ना.

गोंयचे सुटके उपरांत पोन्या व्याप्त वाठारांनी लेगीत गणेशपुजा आनी चवथ व्हडा उमेदीन मनोवपाक सुरवात जाली. आयज 'चवथ' हो गोंयचे समाजीक जीणेंतलो महत्वाचो उत्सव जाला. नवे कपडे-लुगटां घेवपाचीं आसात ? केन्ना? दिवाळेक ? न्हय चवथीक ! घराक रंग काडपाचो ? घरांत नव्यो वस्तू (टीव्ही, फ्रीज) घेवपाच्यो ? चवथीक ! हरशीं उद्देगधंद्यानिमतान वा घरभाटाचे वांटणेक लागून विभक्त जाल्ले घराबे, चवथीच्या वेळार चुकनासतना एकठांय येवन हांसूनखेळून रावतात. घरदार भुरग्याबाळांनी भरुन वता. आठ दीस आदींसावन रांदचे कुडींत नेवऱ्यो-मोदक तयार करपाचें काम चलता. जाल्यार घरांतले दादले भायर 'गणपतीची कूड' निवळ करप, तिची रंगरंगोटी करप, मखरां सजोवप, माटोळेची चौकट तयार करप वा घासून पुसून निवळ करप आदीं कामां करुंक पेंगट बांदतात. चवथीच्या वा आदल्या दिसा बायलां पत्री हाडप, दुर्वो-फुलां काडप हातूंत जाल्यार दादले माटोळी बांदप, सजावट, मुर्ती हाडप हातूंत गुल्ल आसतात. गोंयचे चवथीची दोन मुखेल आकर्शणां-खाशेलपणां-वेगळेपणां, एक : माटोळी आनी दोन : आरत्यो (चड करुन घुमटावयल्यो). प्रस्तुत पुस्तकांत माटोळेच्या गिरेस्त दायजाचो अभ्यास केला.

चवथीच्या उत्सवाची फाटभूंय :

चवथीचे परबेक मुखेल फाटभूंय आसता ती श्रावण म्हयन्यांतल्या निसर्गाची. श्रावण-भाद्रपदांत भूंय-धर्तरीमाय खरेपणान पांचवो शालू न्हेसता. पानां-फुलां-फळांनी झाडां गच्च भरिल्लीं आसतात. ऋतुराजाच्या ह्या देखण्या रुपांक लागून वातावरणांत एकतरेचे ताजपण आनी प्रसन्नताय आसता. हरशीं इल्लेशें काम करतकीच हे कोंकण-भुयेंत जीव जाम जाता. पूण श्रावण-भाद्रपदांत मात उदंड ऊर्जा-उत्साह अणभवपाक मेळटा. निसर्ग मनशाक सदळ हातांनी आपणालें सर्वस्व प्रदान करता. विंगड रंगांची, विंगड रुपांची, विंगड परमळांची फुलां, विंगड रसांची फळां आनी विंगड आकारांचीं पानां(पत्री). निसर्गाचें हें सृजन पळोवन मनीसय नवोन्मेष आनी नवोन्मादान भरुन वता. निसर्गान दिल्लें हें दान फेडपाखातीर- परतुपाखातीर-ताच्या उपकारांतल्यान मेकळें जावपाखातीर न्हय, तर आपूण निसर्गाचें कितेंतरी 'देणें' लागतां, हे कृतज्ञतायेचे भावनेंतल्यान मनशान निसर्गाची-सैमाची पूजा सभ्यतायेच्या (civilisation) खंयच्यातरी पावंड्यार सुरु केल्ली आसूंक जाय. माटोळेचीं मुळां हेच सैमपुजेंत आसात.

हिंदूधर्म आनी निसर्ग :

हिंदू आचार आनी विचाराच्या दरेका पावंड्यार 'निसर्ग' सेगीतपणान-वेगळो काडपाक जायना इतलो-जोडिल्लो पळोवपाक मेळटा. हिंदू मनीस आनी सैम हांचो हो गोफ-मेळ इतलो सुंदर आनी येवजणबध्द आसा, तातुंतल्यान तो मेळ घालपी ऋषीमुनींचे आनी जाणटेल्यांचे कल्पकतायेची आनी बुध्दीमत्तेची वळख घडटा. जल्म तें मरण आनी उपरांत लेगीत मनशावांगडा सैम कसल्या ना कसल्या कारणान आनी खंयच्या ना खंयच्या कारणान जोडिल्लो पळोवंक मेळटा. जल्माक आयिल्लें बाळक, दुर्वांभशेन सुदृढ आनी सृजनशीळ (हरयाळीभशेन फुडें फुडें कोमरी येवन विस्तारपी) जावंचें देखून ताचे तकलेर बारश्यादिसा दुर्वो दवरपाची चाल आसा. तशेंच मनीस मरतकीच निमण्या-संस्कारांच्या वेळार ताचे नग्न कुडीचेर झाडाच्यो खांदयो दवरतात आनी ताका लाकडाच्या सरणाचेर लासतात. तो मेल्याउपरांत ताच्या वर्सश्राध्दावेळार, ताचें श्राध्द करपी व्यक्ती दर्भाची मुदी, दर्भाचें आसन, तीळ, दुर्वो, तुळशी आदीं वापरतात. बायलांनी करपाची तुलसीपुजा , वडापुनव, मंगळागौर आदीं व्रतां सैमपुजेकडेनच संबंदीत. 'गौरी' म्हळ्यार पार्वती - पर्वताची धूव. तिका निसर्गदेवता म्हण पुजतात. तिचें चित्र - प्रतिमा बी पुजनासतना फकत कांय वनस्पतींचीं (चिड्डो, हर्ने....बी) चुडी बांदून, ते चुडीचीच चवथीवेळार पुजा करतात. (आयज हे चुडीक भायल्यान पार्वतीचें चित्र रेंवडायतात.) मंगलागौरीच्या व्रतावेळार गौरीचें आसन म्हण माडाच्या चुडट्यांची 'पातापुता' वापरतात. खंयचेय धर्मीक विधीवेळार पुण्याहवाचन करतना कलशांत 'पंचपल्लवा' च्यो ताळ्यो दवरपाची परंपरा आसा. आंब्याताळो आनी पानां खंयच्याय मंगलसमयाचेर दाराचेर वा पुजेचे सुवातेचेर

बांदपाची चाल पूर्वापार आसा, तेचप्रमाण पुण्याहवाचनावेळार कुंभ/कलशांत दशौषधी दवरतात. घडुल्यांसयत केळ वा तिचो 'मोको' मंगलसमयाचेर प्रवेशद्वाराचेर बांदतात. रस्त्याचे वा दाराचे दोनय वटांनी 'केळी' वा भिल्लमाडाच्यो 'माळो' आनी खांदयो लावन आर्कां वळून आरास करतात. जायत्या उत्सवांवेळार वल्ली/लता पुजन जाता, जाल्यार पत्रीपुजा करुंक दुर्वो, तुळस आनी हेर पानां वापरतात. अग्नीकुंड करुंक केळीचे गबे जाल्यार लग्नविधीं पयलीं आंब्याचीं पानां वांटकुळीं करुन समिधां-भोंवतणी गुठलायतात.

लग्नविधींत वनस्पतींचो उपेग जायतो जाता. लग्न आशिल्ल्या घराच्या दारांत माटव (मंडप) घालतात. सुरवेक त्या माटवाक आंब्या-ताळो बांदतात. (जायतेकडेन म्हेडीक आंब्या-ताळो बांदून उपरांत ती म्हेड जमिनींत पुरतात.) हळडीवेळार व्हंकलेक आंब्या-पानांनी हळद लायतात. ह्यावेळार पाच रूमडा-बड्यो पानान बांदून एके कोंड्याचे दालींत दवरतात. (तिकाच मंडप-देवता म्हणटात). मंडप पुजनावेळार न्हंवरोव्हंकलेच्या कुळांचें 'कुलचिन्ह' आशिल्ल्या 'कुलवृक्षाची' (आंबो, जिनो, कलम, सांवर... आदी) खांदी (खांबली) दारांत लायतात आनी पुजतात. दसऱ्याक आपट्याचीं पानां लुटप, दिवाळेक कारीट फोडप, गुढीपाडव्याक कडुलिंबाची चटणी खावप, दिवाळेक 'तुळशीचें लग्न' करप (गोंयांत हीच खरी आनी व्हडली दिवाळी), नवरात्रांत णव दीस धान्य रूजवणाक घालून पुजप, चवथीच्या दुसऱ्या दिसा 'नव्याची' (भाताच्या कणसाची - नवधान्याची) पुजा करप, ह्यो सैमपुजेच्योच देखी. प्रस्तुत पुस्तकाच्या परिशिश्टांत 'आयतार पुजा' आस्पावल्या. वनस्पतींचें पालनपोशण करपी सूर्याची ही पुजा. तशेंच थारायिल्ल्या वेळार आनी थारायिल्ल्या जाग्यार आपसूंक रुजून येवपी वनस्पतींच्या 'निसर्ग-चक्राची' (Nature cycle) ही पुजा. हे दिसा रंगीबेरंगी पानाफुलांनी भरिल्लो 'कोकोबा' तयार करून ताची पुजा करतात आनी सांजे सूर्यास्ताआदीं ताचें विसर्जन करतात. कुष्मांड-नवमी (कुवाळ्याची पुजा), करकटी-पुजा (काकडीची-तवश्याची पुजा), वडाची मुंज, सोलिल्ल्या नाल्लाची 'गणपती' म्हण जाल्यार असोलया नाल्लाची 'म्हादेव' म्हण पुजा, अशा जायत्या प्रथांतल्यान निसर्गपुजा आनी वनस्पती-पुजन, हो हिंदू धर्म आनी जीवन पद्धतींतलो एक अविभाज्य वांटो जावन पडला. आयज पर्यावरण संरक्षण, प्रदुशण-नियंत्रण, वृक्षारोपण अश्यो येवजण्यो सरकारी पावंड्याचेर कायद्याच्या आदारान राबयिल्ल्यान जितलें जैत मेळटा, ताचेपरस शेंकड्यांनी पटींनी चड यश ह्या परंपरांच्या पालनाक लागून मेळटा. पुर्वजांचे हे कल्पकतायेन मनशाक सैमाकडेन बांदला. देवरायो, नागपंचम सारक्या संकल्पनांक लागून वृक्षतोड आनी प्राणीसंहार जावपाक पावना हें तर जालेंच, पूण त्यायपरस 'वृक्षवल्ली आम्हा सोयरीं वनचरें' अशे नाते - संबंद मनीस आनी सैम हांचेमदीं निर्माण जावंक पावल्यात.

ह्या प्रथांफाटलें कारण फकत धर्मीक कर्मकांड ना, हें समजून घेवप गरजेचें. सामान्य मनशाक एखादले गजालीचें महत्व पटोवन दिवपाखातीर धर्मीकतायेचो-श्रद्धेचो-भावनेचो-पापपुण्याचे संकल्पनेचो आदार घेतिल्लो आसत. पूण खरेपणान तेफाटली मुखेल भूमिका 'सहजीवना'ची (co-existence) आसा. निसर्ग आनी मनीस हांचे मदलें नातें संघर्शाचें न्हय तर समन्वयाचें जावन आसा. 'तुमी जगात आनी हेरांकूय जगूंक दियात' (Live and Let others live) असो कल्याणकारी विचार ताचेफाटल्यान आसा. मनशान जिवीत जगचें तें, निसर्गाचें 'शोषण' (Exploitation) करून न्हय तर 'दोहन' करून. सैमान मनशाचें पोशण करचें आनी मनशान त्याबदलाक ताचें 'दोहन' करचें, असो कल्याणकारी विचार ताचेफाटल्यान आसा. (प्रस्तुत पुस्तकांत दिल्ल्या संस्कृत श्लोकांतल्यान होच अर्थ व्यक्त जाला) हो उदात्त विचार जनसामान्यांक (masses) पटोवन दिवपाखातीर घडये, भावनेचो-श्रद्धेचो-धर्माचो आदार घेतिल्लो आसत. देखून हो विचार फकत सिद्धांताच्या रूपांत न्हय तर प्रत्यक्ष आचरणांत हाडूंक आमच्या पुर्वजांक जैत मेळ्ळें. हजारांनी वर्सांच्या निसर्ग-सान्निध्यांतल्यान (association) हो विचार मनशान अणभविल्लो. त्या अणभवांतल्यानच हांगाच्या मनशाचें जिवीत घडलें-विकसीत जालें. तातुंतल्यानूच निसर्गपुजा आयली. तातुंतल्यानूच निसर्गोपचाराची पद्धत निर्माण झाली. आयुर्वेद तातुंतल्यानूच घडलो. ताका लागुनूच तुळशी-पुजा सुरू जाली, केळीच्या पानाचेर-खोल्याचेर जेवपाची, दोणो-पत्रावळीची रीत सुरू जाली. देखून हो विचार कालसिद्ध आनी कालमान्य (time tested-time approved) जावंक पावलो. आयज सैमापसून फारकत घेतिल्ल्यान घडये कांय गजाली काळाभायल्यो (outdated) दिसता असत, पूण तांचेफाटलो उद्देस मात नित्यनूतनच उतरलो. संवसारांतल्या साबार प्रश्नांक जापो दिवपाची तांक हे जीवनपद्धतींत आसा. 'माटोळे'ची परंपरा लेगीत हेच जीवनपद्धतीचें एक उपांग जावन आसा.

माटोळी-माटी-माटवी :

माटोळी-माटी म्हळ्यार मंडप/मंटप/माटोव. रत्नागिरी जिल्ह्यांत 'माटवी' असो शब्दप्रयोग प्रचलीत आसा. गोंयांत लग्नविधीवेळार व्हंकलेच्या 'हळडी'चो (तेलस्नानाचो) विधी आसता. त्यावेळार चडकरून जिन्याच्या झाडाच्यो बडयो बांदून एक मंडप तयार

करतात आनी ताका आंब्यापानांचें 'तोरण' बांदतात. हे माटोळेंत व्हंकलेक बसोवन न्हाणयतात. (हे माटोळेंत रूमडाची एक खांदी बांदतात आनी व्हंकलेआदीं हे खांदयेक न्हाण घालतात). चडश्या वाठारांनी गांवांतल्या मडवळान ही माटोळी बांदपाचो नेम आसा. धनगर समाजांत लेगीत चडकरून दसऱ्याच्या उत्सवाक 'माटोळी' बांदतात. सामान्यपणान खंयचेय पुजेक 'मंटपपुजा' ही पुजासाहित्याचे पुजेंतली एक गरजेची पुजा जावन आसा.

चवथीक श्री गणेशाचे मूर्तीमुखार वयर पाश्टाक (छताक) चौकोनी आकाराची एक लाकडाची फासकी (Frame) बांदतात. ती चौकट म्हळ्यार माटोळी (माटोळेचो आदार). आदल्या तेंपार (आनी आजुनूय गांवागांवांनीं क्वचीत) कोंड्याच्यो वा माडयेच्यो कांबी ही चौकट तयार करूंक वापरताले. हालीं तेपार वखारींनी - सॉ मिलींत ताशिल्ल्या हेर लाकडांपसून ती घडयतात. आधुनीक जीणेंत कांयकडेन लोखणाचे कांबीपासून लेगीत अशी चौकट घडयतात. ही चौकट आयज गणपतीचे कुडीच्या क्षेत्रफळाचे तुलनेंत माप काडून करता आसले, तरी आदल्या तेंपार गणपतीचे कुडीच्या क्षेत्रफळा इतली लांबरूंद चौकट, घराघरांत पळोवंक मेळटाली-मेळटा. तशेंच जांची गणपतीची कूड ल्हान आसा, वा ज्या घरांत खूब कुटूंबां रावतात अशा रासवळ घरांनी, गणपतीचे कुडीभायल्या सालांत लेगीत माटोळेची व्हड चौकट बांदताले. पूण माटोळेचे हे चौकटीचो 'आकार' (size/depth) न्हय तर ते चौकटीचें-फ्रेमीचें 'आसप' महत्वाचें. आदल्या घरांक जशी कोठयेकूड तशीच घराचे मुखावल्या भागांत एके कुशीक 'गणपती कूड' गरजेची आशिल्ली आनी ते कुडींत माटोळेची ही वेवस्था. आयज आधुनीक तरेन बांदिल्ले बंगले आनी घरां (फ्लॅट धरून) हांचेभितर लेगीत गणपती पुजपाची जागा आनी पाश्टाक 'माटोळे' खातीर कायमची वेवस्था केल्ली सापडटली. जायत्या घरांनी गिरेस्तकायेपरस हंस, छंद (Hobby), रसीकपण आनी खानदानीपणाचें लक्षण माटोळेचे चौकटेच्या आकारावयल्यान तशेंच ते चौकटेक बांदिल्ले फळफळावळीचें वैविध्य आनी संख्या (Variety & Quantity) हांचेवेल्यान दिश्टी पडटा.

माटोळेचे हे फासकेक भाद्रपदांत फुलिल्लीं आनी फळिल्लीं फुलां-फळां बांदतात. हे फळफळावळी वांगडाच जितीं जिवीं कशीं दिसपी लाकडाचीं फळां बांदतात. हालींतेंपार मेणफळां आनी प्लॅस्टिक (वा Resin चीं) फळांय बांदतात. जाल्यार कांयकडेन फळफळावळीवांगडाच नेवऱ्यो, पोळे (घावनां), लाडू, सात्रां आदी खाद्यपदार्थ लेगीत माटोळेक परंपरेन बांदतात. 'माटोळी' बांदलेबगर गणपती घरांत हाडपाक जायना - असो खर नेम कांयकडेन आसा. माटोळी ही पुजार्ह आसा आनी भक्तांची तिचेर निस्सीम श्रद्धाय आसा. 'श्री' चरणीं कितेंय अर्पण करपाचें आसल्यार, माटोळेक बांदतकीच तें 'ताका' पावता अशी लोकसमजणी आसा. देखून एखादलो निपुत्रीक गणपतीलागीं मागता, 'देवा, म्हाका भुरगें दी. फुडले चवथीक ताका तुजे माटोळेक बांदतां'. आनी ताचें मागणें सफळ जाल्यार-म्हळ्यार ताका भुरगें जाल्यार-खऱ्यांनीच त्या भुरग्याक वस्त्रांत दवरून माटोळेक बांदून काडून तो नवस पावयता. कांय कुटूंबांनी 'माटोळी' बांदपी व्यक्ती (फळफळावळ हाडून ती बांदून दिवपी) थरिल्ली आसता आनी ताणे माटोळी बांदतकीच भेटवस्तू (नाल्ल, वस्त्रां बी) दिवन ताचो भौमान करतात. माटोळी कशी आनी केन्ना बांदची हाचे नेम आनी अटी लेगीत परंपरेन थारायिल्ल्यो आसतात. चडश्या घरांनी पयलीं आंब्याताळो आनी नाल्ल (असोलयो) क्रमान बांदतात आनी मागीर हेर फळफळावळ बांदतात. आपले माटोळेक फळफळावळीचे चडांत चड नग आसचे, अशें दरेकल्याक दिसता. कांयकडेन तये दिसा (तृतियेक) माटोळी बांदून तयार आसूंक जाय जाल्यार कांयकडेन चवथी दिसा ती बांदून जातकीच मागीर गणेशाची मूर्ती हाडटात. निपाणी, संकेश्वर बी वाठारांनी चौकोनी फासकी करीनासतना, आडवे बांदिल्ले बडयेक वा कोंड्याक वा दोरयेक माटोळी बांदतात. गणेशपुजेवांगडाच माटोळीचीय गंधपुष्प घालून पुजा करतात. गणपतीचें विसर्जन जायमेरेन माटोळेक बांदिल्लें फळफूल काडप ना, खावप ना असो दंडक आसा. विसर्जनाच्या वेळार माटोळेचें फळ प्रसाद म्हण वांटपाची प्रथा आसा. सात, णव वा अकरा दीस 'गणपती' उरल्यार माटोळेचीं फळां (चिबूड, केळीं, सुपारी...बी) पिकून, गळून पडटात. तींय प्रसाद म्हण घरांतल्या सगल्यांक वांट्टात. गणपतीचें विसर्जन जातकीच लेगीत माटोळेची फासकी रिती दवरीनात. आंब्याताळो आनी नाल्ल तिका बांदूनच दवरतात. आंब्याताळो उपरांत सुकून गेलो तरी असोलयो नाल्ल फुडले चवथीमेरेन तसोच उरता. लग्न जावन घोवागेर गेल्ले चलयेक आनी जांवयाक, चलयेच्या कुळारसून 'वजें' धाडपाची चाल गोंयांत आसा. ह्या वज्यांत (आदल्या तेंपार खरेंच कोंड्याकांबींचें वजें-पाटलो धाडटाले-आजुनय कांयकडेन धाडटात) खावपाचे जिन्नस (नेवऱ्यो.... बी), फळां आनी फोग बी जायत्यो वस्तू आसतात. हेर सगले जिन्नस चलयेच्या बापायचे अर्थीक तांकीप्रमाण चडउणे आसतले वा नासतले. पूण वज्यांत एक कातरो (शिफ्टें), एक शेल, घड वा घडुलें, आंब्या-ताळो, तवशें-घोसाळें आनी हळडीपान हे माटोळेक बांदपाचे जिन्नस घालुकूंच जाय असो रिवाज आनी संकेत आसा. लग्नाच्या पयल्या वर्सा ह्या वज्याची 'नवीदाद' आसता, पूण उपरांत लेगीत ही चाल

काय प्रमाणांत चालू उरता.

'माटोळी' उतर 'माटोव' ह्या उतराक रूपान आनी अर्थान खूब लागींचें. माटोळी म्हळ्यार एकेतरेचो माटोवूच. पूण तरीय 'माटोळी' उतरांतलें 'टाळी' हें उतर लक्ष वेधून घेता. टाळी म्हळ्यार झाडाची खांदी (ताळी). माटोळेक आंब्या-ताळो चुकनासतना बांदतात. आनीक कसलेंय फळ आसूं वा नासूं, चडउणें आसूं, पूण आंब्याताळो जायच. फळफळावळ बांदतकीच लेगीत माटोळेच्यो रित्यो सुवाती उपरांत आंब्या-ताळ्यानूच भरून वडयतात. आंब्या-पानां तोरण म्हणुनूय लायतात. देखून 'माटोळी' उतराचो संबंद आंब्या-ताळ्याकडेन आसुं येता (मराठींत 'डहाळी' हें 'ळी' न सोंपपी 'ताळी' ह्याच अर्थाचें उतर आसा)

माटोळेंतली फळफळावळ :

कांय पानां (देखीक हळडीपान, आंब्यापान), कांय फुलां (देखीक हर्नें, बोणकाळी....), आनी काय मुळां (देखीक जिरमुल्याचो कंद, कारांदो, हळडीकूट....) बी माटोळेक बांदतात, हें जरीं खरें आसलें तरीं माटोळेक चडशीं फळांच बांदतात. ही फळां सर्वसादारणपणान स प्रकारचीं आसतात :-

1) मनशाचे दीसपट्टे जीणेंतल्यो थळाव्यो भाज्यो आनी फळां :- देखीक केळीं, आंबो, पणस, सुपारी, पेरां हीं कुळागरांतलीं फळां जाल्यार दुदी, नीरपणस, कोयतेवाल ह्यो भाज्यो.

2) अर्विल्ले जीणेंतलीं (चडकरून हेर राज्यांतल्यान आयिल्लीं फळां) देखीक सफरचंद, चिकू, डाळिंब, मोसंबी.

3) रानवटी पूण मनशाच्या उपेगाचीं फळां :- देखीक सतफळ, हरपुलें, शिरमंडोळी, कारांदो....

4) रानवटी आनी विखारी फळां :- देखीक भिल्लफळां, नागुलकुडो, कुन्नळां, वाग-चपको (फूल).....

5) रानवटी पूण वखदी गूण आशिल्लीं फळां :- देखील कांगलां, उरफाटे कांटयेचें फळ......

6) चड करून शोभेखातीर लायिल्लीं फळां :- देखीक रामरखेचीं फळां, हर्नें (फुलां), नाल्लबोंडे.....

फळफळावळीच्या ह्या वनस्पतींभितर नाणो, माट्टी, आयन हीं मदेराचीं झाडांय आसात. माटोळेक बांदपाचे फळफळावळीचे सुमार 104 प्रकार ह्या पुस्तकांत विस्तारान मांडल्यात. काणकोण तें पेडणे तशेंच फोंडे तें सांगें अशा गोंयांतल्या साबार तालुक्यांनी केल्ल्या सर्वेक्षणाचेर ते आदारिल्ले आसात. रत्नागिरी, सिंधुदुर्ग ह्या वाठारांतले माटोळेसंबंदान लेगीत माहिती मेळयल्या. पूण हे वळेरेभायर शंकराच्या झाडाची फुलांसकट ताळी, रानअणस, रानटी सोनेरिया, एरंडाची फळां, हीं आनीक हेर जायतीं फळां/फुलां उपलब्धतायेप्रमाण माटोळेक बांदतात. प्रस्तुत अभ्यासकांनी अशा जायत्या वनस्पतीसंबंदात माहिती एकठांय केल्ली. पूण ते माहितीच्या अर्दकुट्या स्वरुपाक लागून, सगलेच फळफळावळीक ह्या पुस्तकांत आस्पावन घेवंक मेळूंक ना. चवथीच्या वेळार फुलपी-फळपी अशाच फुलांफळांक माटोळेंत परंपरेन सुवात फावो करुन दिल्या, हें मात मतींत दवरप गरजेचें.

माटोळेचे उद्देस :

इतली फळफळावळ सोदून, हाडून, कश्ट घेवन देड दिसाखातीर बांदपाफाटल्यान निश्चितपणान उद्देस आसुकूंच जाय. ना जाल्यार शेंकड्यांनी वर्सां माटोळेची परंपरा जिती उरचीच नाशिल्ली. शेकड्यांनी वर्सा जेन्ना एखादली परंपरा चलता, तेन्ना तिच्या मूळ उद्देसांत भर पडटा. काळ-थळ-परिस्थितीप्रमाण नवे नवे आयाम, तासांकुसां हांची सरमिसळ जाता. माटोळेची परंपरा लेगीत अशीच भोवउद्देशी जाल्या.

सैमपुजेंतल्यान ही परंपरा सुरू जाल्ली आसूंक जाय. मनशाक जशीजशी सृष्टीची बरी-वायट वळख अणभवांतल्यान घडली, तशीतशी तांणे ती 'वळख' माटोळे सारके परंपरेच्या रूपांतल्यान फुडले पिळगेखातीर नोंद करून (Record/Register) दवरली. 'गणेश' वा 'गणपती' हो हत्तीचें तोंड आनी मनशाची कूड आशिल्लो देव. रानांतल्या हतयाचें रूप आशिल्ल्या ह्या 'देवाक' रानांत आशिल्लेभशेनच दिसचें देखून ही रानवटी फळफळावळ बांदपाची चाल आयली.

श्रावण-भाद्रपदांत फुलिल्ल्या आनी फळिल्ल्या भोवरंगी आनी भोवढंगी सैमाक आपले खोशयेच्या उत्सवांत आस्पावन घेतलेबगर सौंदर्यासक्त, रसीक मनीस कसो रावत ? देखून तांणे ह्या उत्सवांत रंग भरपाखातीर ही रानांतली रंगसंगती घरांत हाडून माटोळेक बांदली. फुला-फळांचें सौंदर्य वळखुपी आनी ताका फावो ती 'उच्च' सुवात दिवपी जाणटेल्यांचे रसीकतायेचें कौतुक केलेबगर रावं नजो.

रानावनांतल्यान भोंवतना हे 'वनदेवतेचो' साक्षात्कार ताका जालो. वनराईच्या ह्या सहवासांतल्यान - सांगातातल्यान ते-ते वनस्पतींचे गूण, उपाय, अपाय आनी उपेग ताका कळ्ळे-होल्मले, ते फुडले पिळगेकूय कळचे, फुडल्या पिळग्यांनीय आपणे घेतिल्ल्या ह्या वनस्पतींच्या अणभवांतल्यान शाणे जावंचे आनी हे वनश्रीचो अभ्यास करचो असोय हेत माटोळेफाटल्यान जाणटेल्यांनी दवरलो.

आकाश आनी धर्तरी हांचें नातें केन्नातरी मनशाक कळ्ळें. पंचमहाभूतांतले धर्तरीची सृजनशक्त ताणे वळखली. सैमाच्या पानां-फुलां-फळांतल्यान जाल्ल्या ह्या सृजनाक मानाचो मुजरो करपाखातीर ताणे ती वनस्पत आकाशांतल्या देवाक ओंपली. वनस्पतीचो हाचेपरस बरो भौमान-गौरव आनीक कितें आसुंये ?

जिवितांतले सगलेच अणभव 'गोड' आसनात. कांय अणभव कडवट आनी विखारी, जीव घेवपी लेगीत आसतात. वनस्पतीं वांगडा आयिल्ल्या अशा कडू आनी विखारी, जीव घेवपी अणभवांक लेगीत, विखारी फळां माटोळेक बांदून मनशान सुवात दिली, ती फुडले पिळगेक सादूर-सावध करपाखातीर.

हे संस्कृतायेंत नागाची-विखारी सोरपाची लेगीत पुजा जाता. हाचें कारण ताकालेगीत जगपाचो मनशाइतलोच अधिकार आसा, अशें ही सहिष्णू - संस्कृताय मानता. विखारी नागाचे पुजेभशेन विखारी फळांचीय पुजा.

आयज आमी विजेच्या दिव्यांनी वा बनेरां लावन सजावट करतात. तेच प्रमाण आदल्या तेंपार उपलब्धतायेप्रमाण ती सजावट जाणटेले फळांफुलांच्या आदारान करताले. सौंदर्याचो आस्वाद ते सैमाच्या आदारानूच घेताले, तातुंतल्यान रंगीबेरंगी माटोळी निर्माण जाली.

मनशाचे जीणेच्यो अन्न, वस्त्र, आसरो ह्यो तीनूय गरजो भागोवपी वनस्पतींविशींची कृतज्ञताय, जाणटेल्यांनी माटोळीच्या रूपांतल्यान परगटायली. वनस्पती म्हळ्यार आमचेभशेनच जीव आशिल्लो निसर्गाचो एक घटक अशी तांची धारणा. देखून वनस्पतीच्या अपत्यांचें, फूल-फळ-पानाचें लेगीन 'चीज' जावंक जाय. तिचे निर्मितीचे कश्ट लेगीत सार्थकीं लागूंक जाय. देखून आपूण सेवन करचे आदीं पुर्वजांनी 'तीं' अपत्यां देवाक अर्पण करपाखातीर माटोळेक निवेद म्हण बांदलीं आनी प्रसाद म्हण खालीं.

पावस सोंपत आयला. सृष्टीन फळ धरलां. शेतांत धान्याक कणसां आयल्यांत. फुडल्या कांय म्हयन्यांच्या पोटाची-अन्नाची बेगमी जाल्या. खोशयेन मनशाचें मन भरून गेलां आनी देखून सृष्टीचें 'नवें' (नवधान्य) ताणे माटोळेक बांदलां.

माटोळी-पांचवेचाराचो हो उत्सव अशा विंगड विंगड उद्देसांनी गिरेस्त जायत गेला.

'माटोळे' चो संदेश :-

भारतीय मनीस गिरेस्त परंपरा तिगयता. पूण तिचेफाटलो उद्देस मात विसरता. देखून जायतेफावटीं त्या परंपरांक फकत उपचारांचें, कर्मकांडाचें, कुड्डेपणाचें आनी वेवसायीक बटबटीतपणाचें रूप येता. हीच गजाल आयज माटोळेची जाल्या. दोंगरावेल्या निसर्गसंपत्तीची वळख करून घेवपाचें कुशीकूच, फकत बाजारी लोकांनी दोंगरावल्यान बुड्डून हाडिल्लीं फळां, पैशे मेजून विकतीं हाडून माटोळेक बांदपाची भोगावळ मनशान चलयल्या. हातुंतल्यान सैमाचें लुकसाण तर जालांच पूण त्याय परस माटोळेचो मूळ हेतू आनी उद्देस नश्ट जाल्यात. माटोळेचें हें विकृत रूप मनशाचे पैशे मेजपाचे संवयीतल्यान आयलां.

देखून आयज माटोळेकडेन डोळसपणान पळोवपाचो वेळ आयला. हें गिरेस्त दायज बंद पडूंक जायना. पूण ताचें विकृत-रूप वचूंक जाय. देखून शास्त्रशुद्ध, विज्ञानीक नदर डोळ्यांमुखार दवरून ही परंपरा पुनरूज्जिवीत करूंक जाय. वनस्पतींचो सांगात वाडूंक जाय. आमचीं पावलां शारांकडेन-बाजारांकडेन न्हय तर सैमाकडेन पडूंक जाय. ही परंपरा तिगोवन दवरपाखातीर नियोजनबद्ध येवजण्यांची आनी यत्नांची गरज आसा. आदल्या तेंपार वृक्षसंवर्धनाखातीर वृक्षांक मनीसकुळयेकडेन जोडटाले. अशा अमक्या एका कुळाक जोडिल्ल्या रुखाक 'कुलवृक्ष' म्हणटले. तशेंच जातीजमातीप्रमाण रुखांचीं जमाताचिन्हां (tortines) वा देवकां असतालीं. लग्न वा हेर विधींवेळार आपापल्या जमातचिन्हांच्या रुखाची खांदी 'देवक' म्हण पुजपाची चाल आशिल्ली. ताका लागून 'त्या' रुखाच्या संरक्षण-संवर्धनाची जापसालकी आपसूंक 'त्या' जाती-जमातींतल्या समूहाचेर येताली. आयजचे घटकेक जाती जमातींचेर आदारून न्हय तर हेर कसल्याय निकशांचेर आदारून वृक्षसंवर्धनाची जाणीवपूर्वक येवजण आखची पडटली. भौशीक आवाहन करून गांव, खेडीं हांच्या पावंडयार त्या-त्या वाठारांतल्या वनस्पतींचो सोद घेवन तांचें नोंदीकरण (Documentation) करचें पडटलें. थळावे वैज, जाणकार, जाणटेले हांचीं मंडळां करून झाडांचे गुणधर्म, उपेग, वैज की नदरेन महत्त्व बी परंपरीक निघंटूप्रमाण (materia medica) सोडून काडचे पडटले. महत्त्वाच्या, नामशेश जायत चलिल्ल्या वा धोक्यांत आशिल्ल्या वनस्पतीं बागो, वाटिका, नर्सरी हातुंतल्यान लागवड करची पडटली. थळाव्या, परंपरीक उपचारपद्धतींतलो हे वनस्पतींचो वांटो वळखून, वेवसायीक तत्वाचेर तांचे उत्पादन घेवंचें पडटलें. अशेरीतीन संस्कृतीक - वनस्पतीशास्त्रीय (ethnobotanical) नदरेन वृक्षसंवर्धनाची कृती-येवजण (action plan) राबोवंक जाय. 'माटोळी' हें पुस्तक अशा वावराची सिद्धांतीक मांडणी करता.

- शांतीनगर, फोंडें.

***

संकलकाचें मनोगत

दिलीप पालसरकार

भारत देसाच्या भव्य अशा नकाशाचेर तळटावयलो तीळ कशें सोबून दिसपी आमचें गोंय. हें राज्य आकारान ल्हान आसलें तरी ताची कीर्त मात व्हड. सैमाच्या गोपांत नंदपी गोंयाक सोबीत असो दर्या वेंगायता, तशींच दोंगर-दोंगुल्ल्यांनीं भरिल्लीं पाचवीं रानां सोबयतात. ह्या रान-वनस्पतींनी आमकां फुलां, फळां, पाळांमुळां दिल्यांत. तीं वखदी आसात आनी हेर उपेगातलींय आसात. विज्ञानयुगांत लेगीत हीं आयुर्वेदीक वखदां ''रामबाण वखदां'' म्हण सिध्द जाल्यांत. आयज ह्यो रानवनस्पती सांबाळून दवरपाची वेळ आयल्या. नाजाल्यार कांय नामशेश जावन गेल्ल्या रानजिवांचे बाबतींत जें जातां, तेंच ह्या रानवनस्पतींविशीं जावपाक चड वेळ लागचोना.

हेच नदरेन एक यत्न म्हण, चवथीचे ''माटोळेची'' सोबाय वाडोवपी रानफळांची वळख करून घेवपाचे नदरेन फर्मागुडी, फोंडे हांगासल्या पी. ई. एस् महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान हो प्रकल्प हातांत घेतिल्लो. कोंकणी विभागाचे मुखेली प्रा. भूषण भावे हांच्या मार्गदर्शनाखाला हो वावर जालो. ह्या प्रकल्पाचो उद्देश वयर सांगिल्लेप्रमाण वखदी-वनस्पतींचो उपेग आनी तांचे जतनाये संबंदान लोकामंदीं जागृताय घडोवन हाडप, होच जावन आशिल्लो.

रानांत मेळपी हीं कितल्याश्याच तरांची फळफळावळ शेकड्यांनी वर्सांसावन गांवातले लोक वापरतात. तांचे उपेग फकत वखदांखातीरूच न्हय तर दीसपट्टे जिणेतल्या कितल्याश्याच गरजांखातीर करतात. दरेका गांवांत, दरेका वाठारांत वेगळो-वेगळो असो तांचो उपेग केल्लो दिश्टी पडटा. ही त्या झाडांची वांटून गेल्ली वळख एकरूप करून सगल्या सामकार दवरपाची गरज आशिल्ली. देखून आमी गोंयातल्या साबार वाठारांनीं भोंवून, दरेका वाठारांत कितल्याश्याच लोकांच्यो गाठी-भेटी घेवन तांचेकडल्यान मेळिल्ली माहिती तुमचेमुखार दवरल्या.

संकलनाचें हें काम करूंक जायते कश्ट-दगदग जाल्यात. एकेका मनश्याकडेन चार-पांच फावटी मारच्यो पडल्यात. एकेका दिसा कांयच माहिती मेळूंक नाशिल्ल्यान निर्शेवन घरा येवंचें पडलां. कांय जाणांनी ''तुमी हो वावर कित्याक करतात ? तुमका किदें फायदो आसा ?'' असले वेव्हारी प्रस्न विचारून आमकां परते धाडल्यात. काय वाठारांनी मनांत आशिल्ल्या भयांक, कांचाक लागून जावंये वा आपणे दिल्ले माहितीचे गैरउपेग बी जायत अशें दिसतालें म्हण जावंये, कांय लोकांनी माहिती दिवंक न्हयकार दिलो वा ते गणमणले. पूण सगलेच कडेन आनी सगलेच फावटीं अशें न्हयकार मेळ्ळे नात. कांय लोकांनी ''आपल्या हातीच्या पांच बोटांमदलें एक बोट तरी ह्या व्हड वावराक लागूं दी'' अशें म्हणून आमचे वांगडा भोंवून आमकां माहिती दिली. हे बरे-वायट अणभव आमी खोशयेन घेतले. हाचें कारण आमी हो वावर ''फायचे'' पिळगेखातीर - फुडाराखातीर केला.

चवथीचे ''माटोळेच्या'' फळफळाविशींची माहिती विस्तारान हांगा दिवपाचो यत्न आमी केला. हेर वनस्पतींविशींची अशीच जायती माहिती संकलीत जावंक जाय. पूण गिरेस्त रान-दायजाची माहिती दिवपाच्या आमच्या पयल्याच पावलाक तुमी मनस्पूर्वेक येवकार दितले अशी आस्त आमी बाळगितात.

***

दुर्वांची जुडी

हरयाळी

माटोळी माटवी

प्रा. बाळ विष्णू आपटे

सबंध कोकणपट्टीमध्ये आणि अर्थातच आपल्या गोव्यामध्ये भाद्रपद महिन्यांत चवथ (श्री गणेशचतुर्थी) उत्सव घरोघर मोठ्या आनंदोत्साहाने साजरा होतो. शाडू-चिकणमातीच्या नयनमनोहर श्रीगणेशमूर्ती आणून मखरांत बसवल्या जातात आणि वरती खास करून घेतलेल्या रिपांच्या चौकटीला नाना प्रकारच्या पानाफुलाफळांचा रानसाज लावून माटोळी-माटवीची -मंडप-शोभा केली जाते आणि दीड दिवसापासून एकवीस दिवसांपर्यंत नित्यपूजा, आरत्या, भजनें, फटाके व दारूसामानाची आतषबाजी आणि करंज्यामोदकांच्या नैवेद्याची लयलूट करून आनंदाचा जल्लोष घरोघर लहानांपासून म्हाताऱ्यांपर्यंत सर्वांच्या उत्साहाने साजरा होतो. या उत्सवांतील माटोळी - माटवीच्या शोभेची सांस्कृतिक पार्श्वभूमी शोधण्याचा हा एक नम्र प्रयत्न.

कृषि संस्कृतीचा उत्सव : ग्रीष्माच्या - गिमाळ्याच्या- उन्हाळ्याच्या वैशाखवणव्याने होरपळलेली, तापूनभाजून निघालेली सृष्टी व उललेली - फुटलेली - भेगाळलेली जमीन यांचा रखरखाट म्हणजे अक्षरश: धूळदाण धुराळा उडालेला असतो. मे अखेर किंवा जून सुरूवातीला रोहिणीच्या पावसाचे शिपकारे पडल्यावर त्या मरणकळा आलेल्या धरतीवर तृणांकुरांचे रोमांच फुलतात आणि जीवनकळा उगवते. पुढच्या तीन महिन्यांत आभाळाच्या कृपाजळाच्या वर्षावामध्यें भिजून चिंबचिंब झालेली धरती हरतऱ्हेच्या असंख्यात वृक्षवल्ली तृणदिकांच्या पानाफुलाफळांचा नानारसरंगगंधमय साज लेवून नटून थटून बसते. त्यावेळीं पावसाळाभर जमिनीच्या मशागतीचे काबाडकष्ट केलेल्या शेतकरीवर्गाला कष्टाचें फळ म्हणून पिकलेलें धनधान्य खळ्यावर येऊन वर्षभराच्या पोटपूजेची निश्चिंती झाल्यामुळे सुगीचे - उसंतीचे दिवस येतात, मन प्रसन्न - आनंदी होते. एका दाण्याचे शंभर दाणे करून देणाऱ्या धरतीमातेविषयींचा कृतज्ञताभाव दाटून येतो. उन्हाळ्याच्या धूळदाणींतून आभाळमायेच्या वर्षावाने हरतऱ्हेच्या वृक्षवल्लीतृणवनस्पतींच्या पाना-फुला-फळांचा विविधरंगरसगंध साजश्रृंगार निर्माण करण्याचा चमत्कार करणाऱ्या धरतीमातेचें कौतुकाने व कृतज्ञभावनेने पूजन करण्याची भावना धरतीच्या पुत्राच्या-शेतकऱ्यांच्या मनीमानसी उमाळून येते. त्यांतूनच शेतातील मळीची माती (डिखळे) घरी आणून 'गौरी' म्हणून पुजणे हा कृषिसंस्कृतीतून स्वाभाविकपणे उमललेला सणाचार. (जगभरच्या कृषिसंस्कृतीमध्ये या ना त्या स्वरूपांत अशी भूमिपूजा आढळते). याच सणाचें रूपान्तर आज श्रीगणेश उत्सवामध्ये झालेलें आहे; तरीही अद्यापी श्री गणपतीबरोबर गौरीपूजन असतेच; एवढेच नव्हे तर कित्येक ठिकाणी गौरीचेंच सुप्त महत्त्व जास्त असते - गणपती गौरीबरोबरच जायचा.

ऋषिसंस्कृतीचा संस्कार : हें आदिम कृषिसंस्कृतीच्या दृष्टीने धान्यपिकांनीं व फळभाज्यादिकांनीं भरण-पोषण करणाऱ्या धरतीचें पूजन आहे. पण क्रान्तदर्शी ऋषिसंस्कृतीच्या दृष्टीने साध्या धूळ मातींतून वृक्षवल्लीवनस्पतीतृणांच्या रुखावळीच्या व कीटक-पशु-पक्षी-मनुष्यादिकांच्या पिलावळीच्या अनन्त नामरूपांचा नटनाच मांडणाऱ्या चैतन्यशक्तीच्या कौतुकपूजेचा उत्सव आहे. या चैतन्यशक्तीचा सर्वव्यापी आद्य आविष्कार-हुंकार म्हणजे सकळ सृष्टीचा मुळाधार-मूळकंद-मूलस्पंद ॐ कार होय, हे वैदिक ऋषींचें अन्त:स्फुरण. या ॐ काराच्या लिखित स्वरूपामध्ये दिसणाऱ्या सोंडेमुळे गजमुख प्रतीत होतें - दिसतें; म्हणून पौराणिकांनी मातीच्या मूर्तीला ॐ काराचें गजमुख लावून श्री गणपतीचें देवरूप सिद्ध केलें. म्हणजे आता हे माती (मॅटर) आणि चैतन्यशक्ति (एनर्जी) यांचें संयुक्त देवरूप तयार झालें. ॐ काराच्या लिखित रूपामध्येच अकाराचा अंकुश व सोंडेचा पाश दिसतो. म्हणून हा पाशांकुशधर देव चन्द्रबिन्दिच्या आकारांतून एकदंत व मोदकधारी आहे. सर्वनाशक सर्वभक्षक काळाचे प्रतीक उंदीर; त्या काळावर मात करणाऱ्या - त्याला पुरून उरणाऱ्या चैतन्यशक्तीचे प्रतीक श्रीगणेश, म्हणून तो

उंदरावर स्वार झालेला - मूषक वाहन आहे. असे हें जडचेतनाचे संयुक्त देवरूप मखरांत ठेवून वरती माटोळी-माटवीची मंडपशोभा करायची. विश्वचैतन्यशक्ति आकाशांतून जळवर्षावाच्या रूपाने रेतसिंचन करून भूदेवीला फळवते-फुलवते व तिच्या अंगावर अनन्तनामरूप रुखावळीचा साजश्रृंगार सजवते. तसाच श्री गणपतीवर वृक्षवल्लीवनस्पतींच्या पानाफुला-फळा-कणसांचा शोभिवंत मंडप उभारायचा. म्हणजेच हे श्रीगणेशपूजन म्हणजे मूळ विश्वचैतन्यशक्ति धूळमातीतून रुखावळीच्या नानारूपरस रंगगंधमय नटनाच मांडते या कल्पनेचा समग्र प्रतीकमय मनोरम आविष्कार होय.

मुळांतल्या कृषिवलसंस्कृतीतील साध्या उत्सवाचे प्रगल्भ ऋषिसंस्कृतीचे उन्नयन करून हा संस्कार घडविला आहे. या संस्करणाची स्मृति पुराणांतील एका कथेमध्ये स्पष्ट आढळते. पार्वतीने न्हाताना आपल्या अंगाच्या मळापासून एक बालक निर्माण केले; श्री शंकरांनीं त्याला मारले; पण नंतर त्याच्या धडावर हत्तीचे शिर लावून त्याला जिवंत केले, अशी ती कथा आहे. पार्वती म्हणजे पर्वतकन्या - म्हणजे पर्वतांत उगम पावून वाहणारी नदी; ती पावसांत न्हाते तेव्हा पुराच्या पाण्यांतून मळगाळ आणून दोन्ही तीरांवरील शेताभाटांत पसरते; या मळागाळाच्या सुपीक मातीतूनच प्राणचैतन्यशक्तीचा रुखावळीच्या अनन्त नामरुपांचा रम्य नटनाच चालतो आणि धान्यफळादिकांची समृध्दि लाभते. म्हणजेच मातीच्या गोळ्यांतून ॐ कार प्रकटतो तो श्रीगणेश. शेतीची कामें करून घेतांना जनावरांना प्रेरण्यासाठी अंकुश व आवरण्यासाठी पाश आवश्यक म्हणून तीं आयुधें. नांगराचा फाळ म्हणजे एकदन्त आणि शेतकऱ्याच्या कष्टांचे धान्यसमृध्दिरूप फळ म्हणजे मोदक (मोद म्हणजे आनंद देणारा) धान्याचा नाश करणारा उंदीर शेतकऱ्याचा शत्रू म्हणून श्रीगणेश देव त्याच्यावर स्वार होतो आणि उंदरांना खाऊन शेतीचे रक्षण करणारा साप हा शेतकऱ्याचा हितकर्ता मित्र म्हणून श्रीगणेश त्याला अंगावर मिरवतो असे हे समग्र कृषिसंस्कृतीचे रम्यरूप !

माटोळी - माटवी : कृषिसंस्कृति व ऋषिसंस्कृतीच्या मनोहारी समन्वयांतून भारतीय परंपरेने साकारलेल्या या श्रीगणेश-उत्सवामध्ये निसर्गाच्या (आजच्या भाषेत पर्यावरणाच्या) रक्षण-वर्धन-पूजनाचा भाव निरंतर जागवला आहे. मंडपशोभेसाठी जी माटोळी-माटवी सजवायची त्यांत निसर्गाने निर्मिलेल्या हरतऱ्हेच्या यच्चयावत् सकल पानाफुलाफळांचा समावेश करायचा असतो. वेगळा कसलाच नाही. निसर्गाने जे जे नावरूप निर्माण करून धरतीवर मांडले आहे ते ते सर्व या श्रीगणेशरूपी चैतन्यशक्तीच्या पूजनासाठी सजावटीसाठी घ्यायचे. साधा/सुंदर, अनमोल/बिनमोल, उपयोगी/निरूपयोगी, लहान/मोठा असा कसलाही भेदभाव देवापाशी नसतो. देवाने निर्मिलेल्या सगळ्याला सारखेच स्थान असते हा सर्व समावेशकतेचा भाव निसर्गातूनच शिकायचा. निसर्गाला एकांगीपणा, एकसुरीपणा, एकारलेपणा मंजूर नाही; विविधता, नानातऱ्हा अशा अनंत नामरूप-आविष्काराचे सहजीवन-समन्वय मंजूर आहे. (नेचर डझनॉट टॉलरेट मोनोकल्चर; नेचर लव्हज् अँड मेन्टेन्स् पॉलीकल्चर). हा समन्वयाचा - सहजीवनाचा - सामान्यातिसामान्य तणपात्याचाही आदर करण्याचा भाव जागवणे हेच मानवसंस्कृतीचें आद्य व प्रधान कर्तव्य आहे.

चवथीच्या दिसांतलीच ही एक वनस्पती. धाकटुल्याचश्या ह्या पांचव्या झाडाक धवीशेपेत पानांय जातात. तांका फळांचो घोस जाता आनी ल्हान-ल्हान गुलाबीं-तांबडीं फुलां जातात. पूण ह्या झाडाक म्हत्त्व आयलां तें ताच्या धव्याफुल्ल पानांक लागून. श्रावणांत आयतार पुजतांना शेरवडाच्या पानांचो उपेग करतात. पुजेखातीर खासा करून निमाण्या आयताराक फकत शेरवडीचीच पानां वापरतात. कोणाकूय घुंवळ आयल्यार शेरवडीचें फळ झरोवन दितात. तशेंच कडकी वा जोर आयल्यार शेरवडीचें आनी कांगलिणीचें पाळ दुदांत झरोवन दितात. नागपंचमीक फुलांवांगडाच शेरवडांय बांदतात. माटोळेक शेरवडीचो झेलो सोबून दिसता.

Mussaenda belilla **Buch. - Ham.**
(Rubiaceae)

A rambling shrub climbing by its long flexuouse divaricate branches. Leaves and white lobes of flowers eaten in some parts of the country. Leaves also used as manure. Wood used in making small articles.

97A

शिवरडोली

यास श्रावडे, श्रावड, अच्छूक, आऊल असेही म्हणतात.

उपयोग -

१) याच्या मुळांच्या सालीचा उपयोग कपडे रंगविण्याकरिता करतात.

२) श्रावणात मंगळागौरीसाठी हिची पाने लावतात.

३) संधिवातावर हिच्या पानांचा रस काढून लावतात.

४) काविळीवर हिच्या पानांच्या चार पसाभर रसात तितकेच गाईचे दूध घालून देतात.

५) पांडूरोगावर हिचे मूळ गोमूत्रात उगाळून २१ दिवस देतात.



98

सतफळ
भुरग्यांच्या सप्तकी वखदाचो एक घटक. हाचे भितरली बी झरोवन भुरग्यांक जोराक वा थंडेक उपाय म्हण माथ्याक लायतात.

सतफळ
संस्कृत - हिज्जल, विशुल, निचूल
गुजराथी/हिन्दी - समुद्रफल
मराठी - सत्फळ

सत्फळ - कडू, उष्ण, रेचक व वामक; क्रफवात नाशक.

उपयोग -
१) लहान मुलांना कफ व श्वास झाल्यावर - कफ बाहेर पडण्यासाठी याचा वापर करतात.
२) आमातिसारावर - हिच्या पानांचा रस मधातून देतात.

Barringtonia acutangula **(L.) Gaertn.**
(Lecythidaceae)

Tender leaves edible. Bark, roots and seeds are employed as fish poison. Used as a weekly medicine for children.

98A

98

सफरचंद

गोंयांत पिकना, पूण बाजारांत जायत्या प्रमाणांत मेळटा आशिल्ल्यान जायत्या वर्सांसावन हें रुचीक आनी पुश्टीक फळ माटोळेक बांदतात. रक्तक्षय, हागवण, पोटाचीं दुयेसां, तकली फोडप, सुकी खोकली, मुतखडो ह्यासारक्या दुयेंसांचेर तें गुणकारी आसा.

Pyrus malus
(Rosaceae)

It is not a local fruit. Often tied to the matoli as it is commonly found in the market. There is a saying "An apple a day keeps a doctor away".

98A

सफरचंद
संस्कृत - सेव
हिंदी - सेबफल
सफरचंद - पौष्टिक, कफकारक, हितकारक

उपयोग -

१) आम्लपित्त व अपचन झाल्यावर - सफरचंद खातात.
२) पोटातील आंबटपणा मोडण्यासाठी सफरचंद खाल्ले जाते.
३) आयवातावर - सफरचंद खाल्ले जाते.
४) अतिसारामध्ये गुणकारी आहे.
५) सफरचंद विस्तवावर भाजून खाल्ल्याने अत्यंत बिघडलेली पचन क्रिया सुधारते.
६) ज्ञानतंतूच्या व मेंदूच्या दुर्बलतेवर हे पौष्टिक फळ मानले जाते.

99

सीताफळ

खावपाक रूचीक, जिबेर दवरल्याबराबर विरगळपी, आंतेराचेच जातीचें हे फळ. काळजाक बळ दिवपी फळ म्हण तें फामाद आसां. हें फळ खातकीच स्मरणशक्त वाडटा तशेंच आयुश्यमान वाडटा. ह्या फळाच्या बियाची पूड माथ्यांतल्यो उयो तशेंच कोंडो पयस करपाखातीर वापरतात.

सीताफळ

संस्कृत - सीताफळ, सीताफलं, गण्डगात्रं, कृष्णबीजं

हिंदी - आथ

मूळ नांव शीत फळ असावे. पुढे त्याचा अपभ्रंश होऊन सीताफळ हे नांव पडले असावे.

सीताफळ - मधूर, शीत, बलकारक, कफकारक, स्वाद, पौष्टिक, पित्तनाशक.

उपयोग -

१) मूत्राघातावर - सीताफळाची मूळी उगाळून देतात.

२) दाहशमनासाठी - पिकलेले सीताफळ फोडून दवात ठेवतात व प्रात:काळी खायला देतात.

३) वजन वाढण्यासाठी - सीताफळाचे सेवन करतात.

४) सीताफळाच्या सालीमध्ये जखम स्वच्छ करण्याचा व जखमेतील किडे नष्ट करण्याचा गुण आहे.

***Annona squamosa* L.**
(Annonaceae)

A tree about 20 ft. high. Sepals minute, triangular, pubescent. Fruit yellowish green when ripe, easily broken into large pieces. It is used as a table fruit.

99A

100

सुपारी

सुपारेचो कातरो (शिफ्टें) माटोळेक जायच. देवकार्यांत सुपारेक पवित्र फळ मानतात. गोंयकार गरीब जावं वा गिरेस्त, माटोळेक ल्हानसो तरी कातरो तो लायतलोच. सुपारी (खळांतली वा सुकी) खातात. सुपारेपसून रंग तयार करतात. सुपारेचीं सुकीं सोल्लां पायपोस, ब्रश बी तयार करूक वापरतात, तशेंच तांचो धुंवर जळारां पयस करता. सुपारेचे माडयेपसून कांबी काडटात. सुपारी पचनशक्त वाडयता, देखून जेवणाउपरांत सुपारी खावपाची रीत आसा.

सुपारी

संस्कृत - पूग, पूगफला, क्रमुका:
हिंदी - सुपारी, छालिया
गुजराथी - सोपारी, पोफळ

सुपारी - तुरट, रुक्ष, सारक मधूर, पथ्यकर, दीपन, मल, वायू, कफ, पित्त व दुर्गंध नाशक.

उपयोग -

१) चपट्या जंतांवर - कच्ची सुपारी दुधात घालून देतात.
२) अर्धशिशीवर - अर्धी सुपारी उगाळून लेप लावावा.
३) कृमीवर - सुपारीचे चूर्ण ऊन पाण्याबरोबर देतात.
४) खरजेवर - सुकलेल्या सुपाऱ्यांची साले जाळून राख (काळी) करतात व ती तिळाच्या तेलात घालून लावतात.
५) घाम कमी होण्यास - चिकणी सुपारी देतात.
६) नायट्यावर - चिकणी सुपारी उगाळून लावतात.

***Areca catechu* L.**
(Arecaceae)

A graceful slender stemmed palm. Trunk reaching nearly 100 ft. high. Leaves pinnate 4-6 ft. long. Wood is used for variety of purposes. The sheaths of the leaves are made into hats and also used for writing on. The principle product of the tree, however, is the hard seed, which is chewed by the natives with lime and the leaves of the piper-betal.

100A

101

हड्डें

चामडें रापोवपाक ह्या फळाचो उपेग जाता. हाचें लाकूड खूब घट आसता. कर्नाटक सरकारान हें झाड मारपाचेर बंदी घाल्या. हरडें अशें मूळ नांव.

हिरडा
संस्कृत - हरीतकी
गुजराथी - हरडे

हिरड्याच्या सात जाती आहेत - विजया, रोहिणी, पूतना, अमृता, अभया, जीवंती, चेतकी. यात बाळहिरडे, सुरवारी हिरडा, काबुली हिरडा असे प्रकार आहेत.

हिरडा - रूक्ष, उष्ण, अग्नीदीपक, तिखट, कडू, त्रिदोषनाशक.

उपयोग -

१) वातरक्तावर - सुरवारी हिरडा किंवा बाळहरीतकी यांचे चूर्ण गुळात कालवून देतात.
२) आवेवर - हिरडा, सुंठ व गुळ समभाग घेऊन त्यात मावेल इतका निंबाचा रस टाकून गोळी खायला देतात.
३) अम्लपित्तास - एक भाग हरीतकी, एक मनुका व साखर दोन भाग यांच्या गोळ्या करून सांज सकाळ घेतात.
४) ओकारीवर - हिरड्याचे चूर्ण मधाशी देतात.
५) बध्दकोष्टावर - बालहिरडे, सोनामुखी, बडीशेप व पादेलोण यांचे चूर्ण ऊन पाण्याबरोबर घेतात.
६) नेत्ररोगावर - हिरड्याचा काढा करून त्याने डोळे धुतात.

***Terminalia chebula* Retz.**
(Combretaceae)

Dried flesh of the fruit is rich in tannin. Fruits highly medicinal, used as laxative, stomachic, tonic & alterative. Trees yield a gum.

101A



102

हर्नें

चवथीक जीं कांय विशेश पत्री वा फुलां वापरतात (देखीक बेल, जायो, तुळशी, दुर्वा) तातूंत हर्न्यांचोय आस्पाव जाता. गणपतीक दुर्वा, म्हादेवाक बेल जाल्यार पार्वतीक हर्नें आवडटात, अशें मानतात. हर्न्यांचीं फुलां बारीक, नाजूक आनी हळडुव्या रंगाचीं आसतात. ताचीं झाडां मात ल्हान रोपांभशेन. आंगान शिडशिडीत, लांब आनी पांचव्याचार पानांचीं आसतात. देखुनूच घडये ताका हर्नें (हिरवें) हें नाव पडलां जावंये. ही रोपां चोंब्यांनी किल्लतात आनी फुलतकीच सुंदर - मनभुलोवणीं दिसतात. देखून "मनाचें हरण करपी" हाचेवेल्यानूय तांका "हर्नें" हें नांव पडिल्लें आसूं येता. चवथीच्याच वेळार तीं रूजतात आनी फुलतात. तांचें देखणें रुप पळयतकीच तांकां ऋतूराणी म्हणचेंशें दिसता.

102A



***Senecio belgaumensis* C. B. Clarke**
(Asteraceae)

Roots yield nerve tonic. Emetic.

103

हरपुलें

हें एक रुचीक अशें फळ, जें गोंयच्या जायत्या वाठारांनी दोंगरार मेळटा. ते वालीक जाता, जी काजीचेर वा हेर खंयच्याय झाडार चडटा. रानांत हे फळ दिसतकीच खालेबगर रावपाक जायना. देखुनूच घडये ताका ''हरपुलें'' (मनाचें हरण करपी) म्हण्टात जावंये. हरपुल्याची फकत भायली सालूच खातात. हें फळ दिसपाक केळ्याभशेन दिसता. हाची भाजी लेगीत करतात. ह्या फळाक चंवय, बनकेळीचें फळ वा रानकेळीचें फळ अशेंय म्हण्टात. ह्या फळांत खूब बियो आसतात.

गोमेटी

मधूर, शीतल, दंतपीडानाशक.

उपयोग -

१. फळाची भाजी करून खातात.
२. पित्तावर याच्या फुलांचे चूर्ण तूपसाखरेबरोबर देतात.

Holostemma annulare **(Roxb.) K. Schum.**
(Asclepiadaceae)

Leaves, flowers & fruits are used as vegetables. Bark yields a felere used for making cordage and paper making.

103A

104
104A

Curcuma longa L.
(Zingiberaceae)

Rhizomes are source of turmeric, used as colouring agent & condiment. Highly medicinal. Leaves also used for flavouring.

हळदीफूल
क्वचीत फुलपी ह्या हळदीच्या फुलाक बरो परमळ येता. रानवटी हळदीचें फूल चडकरून माटोळेक लायतात (आंबेहळद). आंबेहळडीचे पाळ म्हळ्यार भुरग्यांचें सप्तकी वखद. हाडां घट जावपाक, तांचेमदले बुराक वा खांची भरून येवपाक आंबेहळडीचो - भोवच उपेग जाता. हळदीचें कूट माटोळेक बांदपाची चाल आसा.

हळदफुल (हळद)
संस्कृत - हरिद्रा, रजनी
गुजराथी - हळदर
हिंदी - हळदी

हळद - तिखट, कडू, उष्ण, रूक्ष, स्त्रियांचे भूषण, कफ, वायू, रक्तदोष, कृमि, विष, अरूची, पित्त नाशक.

उपयोग -

१) हळदीच्या अंगी रक्त शुद्ध करण्याचा गुण आहे.
२) खोकल्यावर हळद भाजून निजतेवेळी ती चावून खातात.
३) सर्दी/खोकला : तापलेल्या दुधात हळदीचे चूर्ण घालून देतात.
४) मुतखड्यावर पेजेत हळद व गुळ घालून घेतात.
५) डोळे येण्यावर : डोळे आल्यावर खुपायला व दुखायला लागल्यास हळदीच्या काढ्यात फडकी भिजवून डोळ्यावर ठेवतात.
६) जखम झाल्यावर हळदीची पूड दाबून धरली असता जखमेतून निघणारे रक्त बंद होते व जखम लवकर भरून येते.

माटोळेचो बाजार

गोंयचे संस्कृतीक जीणेंत आपली खाशेली सुवात निर्माण केल्ली माटोळेची परंपरा, अर्थीक जीणेचेर प्रभाव घातले बगर कशी रावत ?

गोंयांतल्या बागायत-मालाची विक्री-केंद्रां मानिल्ल्या भाणास्तारी तशेंच फोंडें हांगाच्या सप्तकी बाजारांनी 'माटोळेच्या बाजारांक' विशेश महत्व आसा. चवथीचे आदीं खबरापत्रांतल्यान जाहीर करून माटोळेचे हे खाशेले बाजार भरतात. बुधवार आनी शनवार (फोंडें बाजार) आनी शुक्रार (भाणास्तारी बाजार) अशे थारिल्ले बाजाराचे दीस आसले तरी चवथीचो दीस पळोवन माटोळेचे खाशेले वेगळे बाजार हांगा भरतात.कुळागरांचेर पोट भरपी फोंडें आनी सांगे म्हालांतले बागायतदार आपापली फळफळावळ घेवन ह्या बाजारांत विक्री करतात. चड करून ही विक्री थोक स्वरूपाची आसता, पूण आपापले माटोळेच्यो गरजो लेगीत आशीकुशीचे लोक ह्या बाजारांतल्यानूच पुराय करतात.

एक वा दोन दीस भरपी ह्या बाजारांतल्यान लाखांनी रुपयांचो माटोळेचो माल खपता.

हेर म्हालांतल्यान आयिल्ले वेपारी ह्या बाजारांतल्यान थोक माल घेवन, आपापल्या म्हालाच्या नगर/शार केंद्रांनी माटोळेचे जिन्नस विकतात. अशेतरेन गोंयांतल्या दरेका तालुको केंद्रांचेर'माटोळेचे बाजार' भरतात. हरशीं कोणाक नाका आशिल्ल्या वनस्पतींच्या ल्हान-ल्हान गोंडांक रू.5/- ते रू.10/- मेरेन मोल फावो जाता आनी माटोळेवेल्या निस्सिम भक्तीक लागून लोक हो खर्च खोशयेन सोंसतात. दरेकलो मनीस,गरीब जावं गिरेस्त, आपले माटोळेखातीर उण्यांत उणे रू. 1000/- रूपयांचे जिन्नस घेताच.

हातूंत मुखेलपणान कातरो वा शिफ्टें, पेंड वा शेल, रानवटी फळफळावळ, असोलयो नाल्ल, तशेंच हेर भाजयेच्या वा खावपाच्या फळांचो आस्पाव आसता. आपणाले माटोळेक बांदपाच्या जिन्नसांभायर 'वजें' बी धाडपाचें आसल्यार, चडूच खर्च करचो पडटा. गांवांगांवातल्यान आयिल्ले कुळागरी वा बागायतदार हे दिसा रानांतल्यान चार-पांच दीस आदींच वचून मारून-बुडडून हाडिल्ले फळफळावळीची विक्री करून पैशे जोडटात आनी आपणाले चवथीची बेगमी करतात. हालीं तेपार गोंयच्या दोंगरांनी ही फळफळावळ मेळना वा उणी मेळटा देखून खानापूर, अनमोड हांगाच्यान त्यो घेवन येवपी 'वेपारी' पळोवंक मेळटात.

माटोळेच्या बाजाराक आयिल्लीं गिरायकां 'चोखंदळ' आसतात. घाग-यो, कांगलां सारकी फळफळावळ ताजी, तट्टटीत सोदून घेतना चार पैशे चड दिवंक तांकां वायट दिसना. चवथी आदी चार दीस सुरु जाल्लो 'माटोळेचो बाजार' चवथी दिसा सकाळीं मेरेन चलता आनी दनपार मेरेन उलगता.

माटोळेचो बाजार

माटोळेचो बाजार

माटोळेक हेर जिन्नस बांदपाखातीर केल्ली तिकटी

माटोळेक बांदिल्लीं सान्नां......

चवथ सोडून हेरकडेन माटोळी

जात्रा, काले, पालखी अशा उत्सवांवेळार देवळाकडल्या रस्त्याचे दोनूय वटांनी आर्का वळून अशी माटोळी बांदतात...



धनगर समाजाची दसऱ्याची माटोळी...

चडकरून चवथीवेळार तुळशीमुखार अशी माटोळी बांदतात...

माटोळेंतले फळफळावळीचे प्रकार / उपेग

	माटोळेचे फळफळावळीचें नांव	विखारी	अविखारी	वखदी	उपेग
1	अर्जुन		,,		सालीचो उपेग गोडेमुताक
2	अणस		,,		खातात.
3	 आग्रां		,,		गांठ विटपाच्या दुयेंसाचेर
4	 आनयाचीं फळां		,,		मदेराखातीर झाड वापरतात.
5	 आंबली		,,		खातात. रक्तरोग, कातीचो रोग हांचेर.
6	आंबाडे		,,		खातात.
7	 आंब्या-ताळो		,,		दीख दोळ्यांत पडल्यार पानान काडटात.
8	आमटीं		,,		खातात.
9	आसाळे		,,		कामणीच्या दुयेंसाक.
10	ईडलिंबू		,,		खातात. आम्लपित्ताचेर वापरतात.
11	 उरफाटे कांटयेचीं फळां		,,		पाळ धुंवळीक झरोवन लावप.
12	उशीकांडो		,,		साखर करतात, रस पितात.
13	अंजीर		,,		कफ जाल्यार खातात.
14	कणंगां		,,		भाजी आनी खीर करून खातात.
15	करडी		,,		जोर आयल्यार पाळ झरोवन लायतात.
16	करमल		,,		खातात. लोणचें करतात.
17	करमल (रानवटी)		,,		पाय वळल्यार सालीचो रस लायतात.
18	कवंडाळें	,,			तकलेची फोडाफोड जाल्यार फळांतलो गर दितात.
19	 कांगल्यो		,,		कामणीच्या दुयेंसाचेर
20	कारवां		,,		लाकूड जळवाक वापरतात.
21	कारांदो		,,		घुंवळ आयल्यार काप तापोवन माथ्यार दवरतात.
22	काळ्यागोंड्याचीं फळां	,,			गोरवांक कुरनाची पिडाजाल्यार साल उकडून दितात.
23	किल्ल		,,		खातात.
24	कुड्डूक		,,		खातात.

	माटोळेचे फळफळावळीचें नांव	विखारी	अविखारी	वखदी	उपेग
25	कुसडेचीं फळां		,,		फळांची भाजी करतात. घोशे, दंत जाल्यार पाळ झरोवन दितात.
26	केवणीचे दोर		,,		ल्हान भुरग्याच्या मुरडाचेर रस दितात.
27	केळ्यां-घड		,,		पोटाच्यो, मुत्रपिंडाच्यो पिडा पयस करपाखातीर.
28	 कोयतेवाल		,,		भाजी करून खातात.
29	 गेळफळां	,,			निर्मळी सारख्या दुयेंसाक फळ झरोवन दितात.
30	गोकर्णीची सांग		,,		माटोळेची सोबाय वाडयता.
31	 घागऱ्यो		,,		----
32	घोटीफळां	,,			पाळां गोरवांच्या विकारांचें वखद.
33	घोसाळें		,,		भाजी करतात, खतखत्यांत घालतात.
34	 चाफ्याचीं फळां		,,		मदेराखातीर लाकूड वापरतात.
35	चिकू		,,		खातात. फ्रूट सॅलडांत घालतात.
36	चिड्डो		,,		----
37	चिबूड		,,		खातात.
38	चिरको		,,		उकडून खातात.
39	जगमां		,,		खातात.
40	जायफळ		,,		पोटांत त्रास जाल्यार जिरवणेचें वखद
41	जिरमुलो		,,		धांत दुयेंसाचेर झरोवन दितात.
42	टिपलूस		,,		लाकडाचो उपेग मदेराखातीर करतात.
43	डाळिंब		,,		निर्मळी वा हागवण जाल्यार सालीचें उदक दितात.
44	तट्टमाडयेची सुपारी		,,		शिजोवन उकडून खातात.
45	तवशें		,,		खातात.
46	ताम्हण		,,		मदेराचें झाड, भुरगे भोवरे करतात.
47	तिळीं		,,		बियो लाडवांक वा नेवऱ्यांक घालतात.
48	तुट्टूट्टां	,,			तकलेच्या दुखण्याचेर वापरतात.
49	तेफळां		,,		पोट फुगल्यार तेफळाचें उदक दितात.

	माटोळेचे फळफळावळीचें नांव	विखारी	अविखारी	वखदी	उपेग
50	तोरींग		”		खातात. फ्रूट सॅलडांत घालतात.
51	द्राक्षां		”		खातात.
52	दुदी		”		फळभाजी खातात.
53	नवें		”		नवें म्हळ्यार भात. गोंयांत भाताचें शीत हें मुखेल अन्न.
54	नागुलकुडो		”		मूळ वखदी आसा.
55	नाण्याचीं फळां		”		लाकूड मदेराखातीर वापरतात.
56	 नारींग		”		फळां खातात.
57	 नाल्ल		”		खातात. देवकार्यांत म्हत्वाचो वापर.
58	नाल्लपेंडी		”		खातात. देवकार्यांत म्हत्वाचो वापर.
59	नाल्ल (किनारी)	”			हीं फळां माटोळेची सोबितकाय वाडयतात.
60	 नाल्लबोंडे	”			----
61	 नीरपणस		”		भाजी करून खातात.
62	पडवळ		”		छातयेंतली धडधड/दूख हांचेर रस भोंवच गुणकारी
63	पडोळेची सांग	”			लाकूड मदेराक वापरतात.
64	पणस		”		खातात.
65	 पातपणस		”		खातात.
66	 पेर		”		दंताच्या दुयेंसाचेर कोमरी खातात.
67	पोपाय		”		कातीचे रोग, घोशे हांचेर गुणकारी.
68	फागलां		”		घुंवळ आयल्यार पाळ झरोवन दितात.
69	फिरशेलीं		”		----
70	बणकीचें फळ				सोऱ्यांत नशा येवपाखातीर वापरतात.
71	बदाम		”		कुडीचे घटसाणेखातीर.
72	बाभळीचीं फळां		”		निर्मळेक फळ झरोवन दितात.
73	बेलफळ		”		दोळे सुजल्यार पानां वांटून लायतात.
74	बोणकाळी		”		नाळकुटाच्या दुयेंसाचेर वखद.

	माटोळेचे फळफळावळीचें नांव	विखारी	अविखारी	वखदी	उपेग
75	 भिल्लमाडाचीं फळां	,,			पानां गोरवांची खावड.
76	 भेकरे		,,		साल धाडावन 'धान' दुयेंसाक वापरतात.
77	मको		,,		शिजोवन वा भाजून खावपाचें फळ
78	 मस्कासांग		,,		पोट निवळ उरपाक पानांची भाजी खातात.
79	माट्टां		,,		मदेराचें झाड. पानां सावळ म्हण वापरतात.
80	मावळींग		,,		ओंकारो, पोटदुखी हांचेर सालींचो रस दितात.
81	मोगें		,,		खातात.
82	मोसंबी		,,		खातात.
83	रानदोडगीं		,,		----
84	रानभेंडे		,,		----
85	 रानवायंगीं		,,		----
86	रानहळद		,,		जखम भरून येवपाक लेप लायतात.
87	रामरखेचीं फळां	,,			ल्हान भुरग्यांक दमो जाल्यार पाळ झरोवन दितात.
88	लिंबू		,,		लोणचें करतात. साल सुकोवन ल्हान भुरग्यांक पोटविकाराचेर दितात.
89	वज्रमूठ		,,		लुतीच्या दुयेंसाचेर वखद.
90	वर्सभोगी		,,		गोडेमुताच्या दुयेंसाक भाजी खातात.
91	वाग-चपको	,,	,,		----
92	 वायंगें		,,		भाजी खातात.
93	वाल		,,		रूचीक, पुश्टीक पालेभाजी.
94	शिरमंडोळेचीं फळां	,,	,,		पानांची भाजी करून खातात.
95	शमी		,,		खांदयो समीधा म्हण वापरतात.
96	शेरवडां		,,		घुंवळ आयल्यार पाळ झरोवन दितात.
97	सतफळ		,,		भुरग्याच्या सप्तकी वखदाचो एक घटक.
98	 सफरचंद		,,		फळ खातात.
99	सीताफळ		,,		स्मरणशक्त वाडपाखातीर फळ खातात.
100	सुपारी		,,		पचनशक्त वाडयता.
101	 हड्डें		,,		चामडें रापोवपाक वापरतात. लाकूड मदेर म्हण वापरतात.
102	हर्ने		,,		---
103	हरपुलें		,,		फळ भाजी वा भजी करून खातात.
104	हळडीफूल		,,		भोवगुणी वखदी पाळ

माटोळेंतले फळफळावळीच्या झाडांचे प्रकार/उपेग/जावपाची सुवात

	झाडाचें नांव	झाडाचो प्रकार	वखदी/उपेगी आंग	जावपाची सुवात
1	अर्जुन	व्हड झाड	साल	दोंगर
2	 अणस	ल्हान झाड/झोंप	फळ	कुळागर/ दोंगर
3	आग्रां	बारीक झाड	पाळ	दोंगर
4	आनयाचीं फळां	मध्यम झाड	साल	दोंगर
5	 आंबली	व्हड झाड	फळ/पान	दोंगर, कुळागर
6	आंबाडे	झाड	फळ	कुळागर
7	आंब्या-ताळो	व्हड झाड	पान	कुळागर, दोंगर
8	आमटीं	मध्यम झाड	फळ	दोंगर
9	आसाळे	मध्यम झोंप	पान, फळ	दोंगर
10	ईडलिंबू	मध्यम झाड	पान, फळ	कुळागर/ बाग
11	 उरफाटे कांटयेचीं फळां	बारीकशें झाड	पाळ	दोंगर
12	उशीकांडो	रोंप	खोड/पान	मळो/बाग
13	अंजीर	व्हड झाड	दीख	कुळागर
14	कणंगां	कंद	---	मळो
15	करडी	बारीक झाड	फुलां	दोंगर
16	करमल	झाड	फळ	कुळागर
17	करमल (रानवटी)	झाड	पानां	दोंगर
18	कवंडाळें	वाल	फळ	दोंगर
19	 कांगल्यो	वाल	पाळ, फळां	दोंगर
20	कारवां	झाड	खोड	दोंगर
21	कारांदो	वाल	फळ	दोंगर/घरभाट
22	काळ्यागोंड्याचीं फळां	मध्यम झाड	साल	दोंगर
23	किल्ल	मध्यम झाड	कोंब	दोंगर
24	कुड्डूक	बारीक रोप	पानां	दोंगर
25	 कुसडेचीं फळां	बारीक झोंप	फळां, पानां	दोंगर
26	केवणीचे दोर	बारीक झाड	फळां, दोर	दोंगर

	झाडाचें नांव	झाडाचो प्रकार	वखदी/उपेगी आंग	जावपाची सुवात
27	केळ्यां-घड	ल्हान झाड	फळ, पान, खोड	कुळागर/घरभाट
28	 कोयतेवाल	वाल	सांग	दोंगर
29	गेळफळां	लहान/मध्यम झाड	फळ	दोंगर
30	गोकर्णीची सांग	बारीकशें रोंप	सांग	घरभाट
31	 घागऱ्यो	मध्यम झोंप	पानां, पाळ	घरभाट/दोंगर
32	 घोटीफळां	व्हड झाड	पाळ, पानां	दोंगर
33	घोसाळें	वाल	फळ	मळो
34	 चाफ्याचीं फळां	व्हड झाड	फूल	कुळागर
35	चिकू	मध्यम झाड	फळ	कुळागर/बाग
36	चिड्डो	ल्हान रोंप	---	बाग/कुळागर/दोंगर
37	चिबूड	वाल	फळ	मळो
38	चिरको	वाल	फळ	दोंगर
39	जगमां	व्हड झाड	खोड	दोंगर
40	जायफळ	मध्यम झाड	फळ-पान	कुळागर
41	जिरमुलो	वाल	फळ	दोंगर
42	टिपलूस	झाड	खोड	दोंगर
43	डाळिंब	ल्हान झाड	बियो, साल	कुळागर/बाग
44	तट्टमाडयेची सुपारी	व्हड, लांब झाड	खोड, बीं	कुळागर
45	तवशें	वाल	फळ	मळो
46	ताम्हण	व्हड झाड	खोड	दर्यांचे/न्हंयचे देगेर
47	 तिळीं	ल्हान रोंप	बीं	शेतात/बाग/कुळागर
48	तुट्टूट्टां	मध्यम झोंप	फळ	दोंगर
49	तेफळां	व्हड झाड	फळ, खोड	दोंगर/कुळागर
50	तोरींग	व्हड झाड	फळ, खोड	कुळागर/बाग
51	द्राक्षां	वाल	फळ	मळो
52	दुदी	वाल	फळ, देंठ	मळो
53	नवें	बारीक रोंप	---	शेत

		झाडाचें नांव	झाडाचो प्रकार	वखदी/उपेगी आंग	जावपाची सुवात
54		नागुलकुडो	व्हड झाड	खोड, दिख	दोंगर
55		नाण्याचीं फळां	व्हड झाड (रुख)	खोड	दोंगर
56		नारींग	मध्यम झाड	फळ	कुळागर/ बाग
57		नाल्ल	व्हड झाड	खोड	दर्यादेगेर
58		नाल्लपेंडी	व्हड झाड (रूख)	सगले भाग	भाट/कुळागर
59		नाल्ल (किनारी)	व्हड झाड	फळ, खोड	दर्याचे देगेर
60		नाल्ल बोंडे	---	---	---
61		नीरपणस	व्हड झाड (रूख)	सगळे भाग	कुळागर
62		पडवळ	वाल	फळ	मळो
63		पडोळेची सांग	झाड	फळ/सांग/खोड	दोंगर
64		पणस	व्हड झाड (रूख)	फळ/सगळे भाग	कुळागर
65		पातपणस	व्हड झाड	फळ	दोंगर/कुळागर
66		पेर	मध्यम झाड	फळ	कुळागर
67		पोपाय	ल्हान झाड	फळ	कुळागर/बाग
68		फागलां	वाल	फळ	दोंगर
69		फिरशेलीं	वाल	पाळ	दोंगर
70		बणकीचें फळ	झोंप	फळ	बांद/व्हाळ/न्हंयचे देगेर
71		बदाम	व्हड झाड	फळ	कुळागर/दोंगर
72		बाभळीचीं फळां	मध्यम झाड	फळ, साल	दोंगर
73		बेलफळ	मध्यम झाड	सगलीं आंगां	कुळागर/बाग
74		बोणकाळी	रोंप	पाळ	कुळागर, दोंगर
75		भिल्लमाडाचीं फळां	व्हड झाड (रूख)	खोड/पानां	कुळागर, दोंगर
76		भेकरे	व्हड झाड (रूख)	---	दोंगर
77		मको	रोंप	बी	शेत/ मळो
78		मस्कासांग	मध्यम झाड	पान, फूल, सांग	बाग/कुळागर
79		माट्टां	व्हड झाड	साल, खोड, दीख	दोंगर

		झाडाचें नांव	झाडाचो प्रकार	वखदी / उपेगी आंग	जावपाची सुवात
80		मावळींग	ल्हान रोंप	फळ	कुळागर / घरभाट
81		मोगें	वाल	फळ	मळो
82		मोसंबी	मध्यम झाड	फळ, साल	कुळागर
83		रानदोडगीं	वाल	---	दोंगर
84		रानभेंडे	रोप	फळ	दोंगर
85		रानवायंगीं	झोंप	---	दोंगर
86		रानहळद	ल्हान रोंप	मूळ / फूल	पठार / दोंगर
87		रामरखेचीं फळां	वेल	पाळ	दोंगर
88		लिंबू	झोंप	फळ / पान	कुळागर
89		वज्रमूठ	रोंप	---	दोंगर
90		वर्सभोगी	वाल	फळ	मळो
91		वाग-चपको	वाल	---	दोंगर
92		वायंगें	ल्हानशें रोंप	फळ	कुळागर / घरभाट
93		वाल	वाल	पानां / सांग	मळो
94		शिरमंडोळेचीं फळां	वाल	पानां	दोंगर
95		शमी	मध्यम झोंप	पाळ	दोंगर
96		शेरवडां	झोप	पाळ	दोंगर
97		सतफळ	ल्हान झाड	पाळ, फळ	न्हंयेदेगेर / व्हाळादेगेर
98		सफरचंद	मध्यम झाड	फळ	मळो
99		सीताफळ	मध्यम झाड	फळ	दोंगर / कुळागर
100		सुपारी	झाड	फळ	कुळागर
101		हड्डें	मध्यम झाड	फळ	दोंगर
102		हर्ने	रोप	---	दोंगर / घरभाट
103		हरपुलें	वाल	फळ	घरभाट, दोंगर
104		हळदीफूल	रोप	मूळ, फूल, पान	कुळागर

श्रावणांतले आयतार

संदीप शं. शेट वेरेंकार, रोशन कुडाळकार

बायलमनीस आनी व्रत ह्या दोगांयभितर एक वेगळेंच नातें आसा. चडश्या व्रतांच्या दिसा उपास करपाची चाल आसा. घडये बायलांचे खर निष्ठेक लागुनूच चडशी 'व्रतां' तांचेखातीर राखीव आसात.

गोंयांत श्रावण म्हयन्यांतले 'आयतार' पुजप हो बायलांचो एक मुखेल सण. एक व्रत-वीर्त म्हण आयाव (सवायशीण) बायलो 'आयतार' पुजतात. 'आयताराची' पुजा अशेतरेन फकत गोंय धरून कोंकणांतूच जाता. घोवाक लांबदीक आयुश्य लाबचें आनी तोच घोव जल्मजल्मांतरी मेळचो म्हण वटपोर्णिमा (वडापुनव) करतात, तेच भावनेन बायलो श्रावणांतले 'आयतार' पुजतात.

'आयतार पुजा' कित्याक ?

'आयतार' म्हळ्यार 'आदित्यवार'. 'आयताराची' पुजा म्हळ्यार आदित्याची - सूर्याची पुजा. सूर्य - सृष्टीचो पालनकर्तो. ताचेच उर्बेचेर - उष्णतायेचेर संवसार चलता. 'आयतार' पुजून सूर्याविशींची कृतज्ञताय मनीस उक्तायता.

श्रावणांतले 'आयतार' पुजूंक खेरीत कारण आसा. आदल्या तेंपार लग्न जावन नव्यानूच घोवागेर गेल्ले व्हंकलेक आपल्या कुळारा परतुपाचें एक 'नीब' जाय आशिल्लें. तातुंतल्यानच पयलो 'आयतार' कुळारा येवनच पुजपाचें 'शास्त्र' निर्माण जालें. श्रावणांतलो पयलो आयतार नवे व्हंकलेन घोवाघरा पुजल्यार तिच्या मांवाक तें वायट पडूं येता अशी लोकसमजणी तयार जाली (केली ?).

आदल्या तेंपार बायलेन घराभायर सरप भोवच कठीण आशिल्लें. अशावेळार 'पत्री' एकठांय करपाच्या निमतान काय जायना, तिका भायर भोंवपाची संद 'आयतार पूजपाचे' चालीन दिल्ली. हे पूजेनिमतान एकामेकांगेर वचप, हळदी-कुंकूम वा फुगडी सारक्या कार्यावळींक लागून तांचेभितर एकवट निर्माण जावप हे हेतू लेगीत साध्य जाताले. हे पुजेक मुखेलपणान विंगड-विंगड वनस्पतींचीं पानां - म्हळ्यारूच 'पत्री' लागता. भोंवतणच्या पर्यावरणाकडेन मनशाची वळख जावंची आनी तातुंतल्यान ते - ते वनस्पतींची राखण जावंची, होय बी 'आयताराचे पुजेफाटलो' उद्देस जावन आसा. वनस्पतींकडेन जाल्ले हे वळखींतल्यान, तांचे वैजकी आनी दीसपट्टे जीणेंतले हेर गूण मनशाक होल्मले.

पुजेचें स्वरूप

सवाशीण बायलो सकाळींफुडें उठून न्हावनधुवून 'पत्री' हाडपाक वतात. हातुंतली कांय पत्री भोंवतणीच जावपी फुलझाडांचीं वा हेर उपेगी झाडांची आसता. जाल्यार कांय पत्री लागीं-लागसारुच जावपी ल्हान-ल्हान वनस्पतींची आसता. पुर्वजांनी ह्या पत्रींक दिसपाक मजेशीर पूण अर्थपुराय अशीं नांवां दवरल्यांत. देखीक

कावळ्याचे कोव, घोड्याचीं पावलां, सोश्यांचे कान आदी.

एक तांबयो (कलश) घेवन भितर उदक घालतात. हळद-पिंजर लायिल्लो एक नाल्ल ताचेर दवरतात आनी मागीर हो कलश पाटार वा खोल्यार पुजूंक दवरतात. पाटाचे उजवे वटेन दिवली पेटोवन दवरतात. ह्या पाटाभोंवतणी/मुखार सोबीत रांगोळी घालतात. 'दाव' म्हण एक धवो कपडो घेतात. तातूंत सुपारी, हळडीचो कुडको (कूट), गंध, हळद-पिंजर लायिल्लें फूल आनी नाणें बांदून एका दोणांत दवरतात. दावांत आशिल्ले सुपारेक 'वरूण देव' जाल्यार नाण्याक 'लक्ष्मी' मानतात. श्रावणांतल्या सगल्या आयतारांक होच 'दाव' सांबाळून दवरून पुजतात. तेच भशेन कलश आनी नाल्ल लेगीत तोच उरता.

दाव दवरपाक जे दोणे (द्रोण) करतात, ते मात दरेका आयताराक बदलतात. पयल्या आयताराक पारजताचीं पानां, दुसऱ्याक हळडीचीं, तिसऱ्याक खांवचीं पानां जाल्यार, चवथ्या (आनी पाचवो आयलो जाल्यार) शेरवडीचीं पानां 'द्रोण' करूंक वापरतात. एकवीस हरयाळीचीं केसरां नाल्लाचेर दवरतात. पांच केसरां दरेकी दोण्याचेर, विड्याचेर (खावचें पान आनी सुपारी), आनी सूर्याक ओंपतात. तशेंच पांच हरयाळेचीं केसरां पूजा करपी बायल आपल्या माथ्यार माळटा. 'आयतार' पुजतनाच दिवलेचीय पूजा जाता.

निमण्या आयताराक (चौथो वा पाचवो) शेरवडीचीं पानां दोणो करूंक वापरतात. हीं पानां धव्या रंगाचीं आसतात. हीं पानां पिकिल्ल्या केंसाभशेन आशिल्ल्यान, तशेंच हो आयतार निमाणो आशिल्ल्यान ताका 'म्हातारो' आयतार म्हणतात. पांचव्या आयताराक (आयलोच जाल्यार) स्त्रीलिंगी झाडाच्या (देखीक हळद, शेरवड आदीं) पानांचोच दोणो करतात.

कसल्याय फळांचो आनी पंचामृताचो निवेद दाखयतात आनी पुजा जातकीच तो प्रसाद आनी तीर्थ म्हण भक्तीभावान वांट्टात. त्याभायर दरेका आयताराक वेगळो-वेगळो खाशेलो निवेद दाखयतात. तांचो क्रम आनी अर्थ असो :-

1) पयल्या आयताराक 'मुठले' (उकडिल्लें पीठ) :- मुठल्यांचो निवेद दाखयतकीच 'आयतार' स्थीर-एका जाग्यार बसता.

2) दुसऱ्या आयताराक 'पातोळ्यो' :- पातोळ्यांचो निवेद दाखयतकीच आयतार 'पातळावन' बसता.

3) तिसऱ्या आयताराक 'खिचडी' :- देव 'सगलेकडेन सगल्या गजालींनी आसा' अशें मानपाची ही चाल. (खिचडेंत साबार जिन्नस आसतात.)

4) चौथ्या आयताराक 'पोळे':- पोळ्यांचो निवेद दाखयतकीच देव पळटा-पळून वता.

निमण्या आयताराक तुळशींत पायतकीच (विसर्जन करतकीच) दाव सोडून तातुंतली सुपारी 'प्रसाद' म्हण बायलां खातात. नाल्लाची पंचखाद करून घरच्यांक आनी शेजाऱ्यांक वाडटात.

सगल्या आयतारांक बायल 'उपास' करता. ती एक वेळचें (रातचें) जेवण जेवता. गरीब आसूं वा गिरेस्त, दृढ निष्ठेन बायलां आयतार पुजतात.

पुजा करपाचे रितींत वाठाराप्रमाण फरक पडटा. कांयकडेन सगले तरेची पत्री एका केळींच्या खोल्यार दवरून ताची पुजा करतात, जाल्यार हेर कडेन कलश-नाल्ल बी वापरून 'आयतार' पुजतात.

पुजेंतली पत्री

गोंयांत पत्रीपुजेसंबंदांत जायत्यो आख्यायिका आसात. एक मनीस पत्री आनी माटोळेची फळफळावळ हाडूंक दोंगरार गेल्लो. तो परतो आयलोच ना. घडये ताका वागान खालो. त्या वर्साच्यान त्या घराण्यांत 'गणेस' पुजीनात. ही चाल आयज लेगीत चालू आसा.

तशेंच हाचेफुडें कोणाक वागापसून भंय उरचो न्हय देखून पंचमी दिसा 'व्याघ्रदेवता' पुजपाची चाल आसा.

मुसंडीचीं (शेरवडीचीं) धवीं पानां कुशीक काडून तिची 'शंकरपार्वती' रुपान पुजा करपाचीय चाल पळोवंक मेळटा.

'आयताराची' पुजा करूंक चड करून सकयल दिल्ली पत्री वापरतात.

हुंदराचे कान, सोंश्याचे कान, कावळ्याचे / सीतेचे फोव, तबकडी, सीतेची तिकली, सीतेचें काजळ-कुंकूम, घोड्याचीं पावलां, घोड्याची जिबली, भिल्लमाड, म्हातारेचीं बोंदरां (म्हातारेची शेंदरी, मांदरी, अशेय प्रकार आसात), सत्री, रामाचीं बोटां, रामाचीं पावलां, कावळ्याचो दोळो, लज, बिंबलो, बेलापान, शेरवडां, आदी. आयतार पुजताना त्यावेळार फुलपी सगले तरेच्या फुलांचो उपेग जाता. पूण पारजताचें फूल 'आयताराचे' पुजेंत सामकें गरजेचें. पारजताचीं पांच तरी फुलां हे पुजेक जायच. वयर दिल्ले वनस्पतींभायर दाय, गवळण, दिवली वा समय, सीतेबोटां, सीतेचंवर, सीते चामय, रामापाट, रामाचो मळ अश्यो हेर वनस्पतीय वापरतात.

श्रावण म्हयनो लागतनाच वयल्या पत्रींच्यो वनस्पती किल्लतात-रुजतात. आकारान साप्प ल्हान, दिसूंक तणांभशेन वा ल्हानशे वालीभशेन आशिल्ल्यो ह्यो वनस्पती तळपांच्या खांचींनी, घराचे भितोडेक, तळ्यादेगेर वा खळयेंत बी जातात. ह्या वनस्पतींक पाणठळ पूण सांवटाची जमीन मानवता. ह्यो वनस्पती इतल्यो नाजूक आसतात, सूर्याचें मातशें वत लागतकीच त्यो बावतात आनी करपून लेगीत वतात. उणेपुरीं म्हयनोभर जगपी ह्यो वनस्पती आयताराखातीर पूर्वजांनी सोदून काडल्यो, हाचे वेल्यान तांची वनस्पतीशास्त्रीय जाण होल्मता. अशेरितीन पत्रीपुजेंतल्यान सैमपुजा करून 'आयताराची पुजा' सोंपता. लग्नाच्या पयल्या वर्सा हे पुजेक बायलांचे नदरेन व्हड महत्त्व आसता.

***

1

म्हातारेचीं बोंदरां

ही वनस्पती 'आयतार' पुजूंक वापरतात, त्याभायर 'गौरीपुजेक' लेगीत वापरतात. पानांचो कसाय करतात.

Selaginella **sp.**
(Selaginellaceae)

It is a wild fern, but often cultivated as ornamental.



2

कावळ्याचे फोव

हाच्यो बियो/फुलां कावळे/सवणीं खातात. थंडी जाल्यार तांचो कसाय करून पितात.

***Eragrostis unioloides* (Retz.) Nees ex Steud**
(Poaceae)

Some varieties used to make mats.

3

4

सीतेचें काजळकुंकूम

***Desmodium triflorum* (L.) DC.**
(Fabaceae)

5

सीतेची तिकली

***Desmodium triflorum* (L.)DC.**
(Fabaceae)

6

सोंश्याचे कान

दंत जाल्यार तांचेर वखद म्हण पानांचो रस घेतात. तांका 'दवलो' अशेंय म्हणटात.

***Elephantopus scaber* L.**
(Asteraceae)

कावळ्याचो दोळो

हें गोगलगायेचें घर.

Commelina benghalensis
(Commelinaceae)

Herb is refrigerent.

7

8

घोडयाचीं पावलां

गौरीपूजन तशेंच आयतार पुजतना वापरतात.

***Adiantum lonulatum* Burm.**
(Adiantaceae)

The plant contains essential oil and the fern is used as tonic.

9

बिंबलो

हांचे पानांपासून सान्नी (पिसुंद्रयो) तयार करतात.

***Cyperus* sp.**
(Cyperaceae)

All the varieties are good as fodder.

10

तबकडी

फळांचो उपेग थरथरो भरता तांचेर करतात. हांच्या बियांपसून 'तुपमिरी' तयार करतात, जांचो उपेग पेयां तयार करूंक जाता.

***Sida rhombifolia* L.**
(Malvaceae)

Entire plant is a nerve tonic. The steam obtained by boiling the plant in water is good to cure back aches due to slip-disc. spondalytes.

भिल्लमाड

Rhynchospora wightiana
(Nees) Steud.
(Cyperaceae)

Used as fodder.

11

12

घोडयाची जिबली

Athyrium hohenackeranum
(Kunze) T. Moore.
(Athyriaceae)

13

सत्री

हिका माड अशेंय म्हणटात. लाजवंती (मराठी) अशेंय म्हणटात.

Biophytum sensitivum **(L.) DC.**
(Oxalidaceae)

Tonic and stimulant. Used in chest complaints.

पारिजातक

संस्कृत - हारधिंगडा

पाच स्वर्गीय वृक्षांत याची गणना आहे. (मंदार, पिंपळ, कल्पवृक्ष, हरिचंदन व पारिजातक)

उपयोग -

१. पाल्याच्या उपयोग हिंवतापावर करतात.
२. फुलांचे देठ कालवून, सुकवून पाण्यात घालतात व पिवळा रंग तयार करण्यास वापरतात.
३. सर्पदंशावर याच्या पाल्याचा व सालीचा उपयोग करतात.
४. गजकर्णावर याच्या पाल्याचा रस लावतात.

Nyctanthes Arbor-tristis, **(L.)**
(Nyctaginaceae)

14



15

उंदराचे कान

Emilia Sonchifolia (L.) DC.
(Emiliaceae)

मराठी - उंदिरकानी
संस्कृत - आखुकर्णी
गुजराथी - उंदरकानी
हिंदी - मूसाकानी

याच्या दोन जाती आहेत. एक बागेत उगवणारी व दुसरी रानात उगवणारी; यात लघु व थोर असे दोन प्रकार आहेत.

उंदिरकानी - तिखट, कडू, उष्ण, शीतल, तुरट, कफ, पित्त, शूल, कृमी नाशक

उपयोग :

१) डोक्यातील गर्मी दूर होण्यास - या झाडाचे चूर्ण नाकात ओढतात.
२) कान फुटल्यास - हिचा रस कानात घालतात.
३) पोटातील गर्मी, कृमी - हिचा रस घेतात.

रान उंदिरकानीचे उपयोग :

१) सर्पाच्या विषावर - हिचा रस देतात.
२) दंतकृमीवर - हिचा रस, मध व पाणी एकत्र करून चूळ भरले असता दातातील किडे मरून दातास बळकटी येते.
३) पोटफुगीवर - हिच्या मुळांना पाण्यात वाटून पोटावर लेप देतात.
४) काटा अंगात मोडून राहिला तर - हिचा लेप करतात व ज्या ठिकाणी काटा रुतला असेल तेथे देतात.

16 *Mimosa pudica* L.
(Mimosaceae)

लज

मूतखडो, पित्त, न्हीद पडना ताचेर उपेग करतात.

लाजाळू

संस्कृत - लज्जालू
गुजराथी - रीसामणी
हिंदी - शर्मानी, इच्छुमुई

लज - तिखट, कडू, तुरट, शीतल, रुक्ष, वायु, कफ, पित्त, रक्तदोष, अतिसार, श्वास, सूज, दाह, व्रण यांचा नाश करते.

उपयोग :

१) डांग्या खोकल्यावर - याच्या मुळाचे चूर्ण मधात देतात.
२) मूळव्याधीस - लाजाळूच्या पाल्याचा रस दिवसातून दोन तीन वेळा मूळव्याधीस लावतात. तसेच मूळव्याध विकारात रक्त थांबण्या करिता पानांचे चूर्ण दुधातून देतात.



17

Lygodium flexuosum **(Linn.)Sw. in Schrad.**
(Schizaeaceae)

रामाचीं बोटां

खोकलेचेर वखद म्हण वापरतात.

गौरीच्या फण्या

उपयोग :

१) धांवऱ्यावर - या वेलीचा पाला वाटून लेप लावतात.

२) आगपैणीवर - या वेली सुकवून यांची काळसर रंगाची कच्ची राख करून, ती तीळाच्या तेलात घालून लावतात.

18

Lygodium flexuosum **(Linn.)Sw. in Schrad.**
(Schizaeaceae)

धर्मीक कार्य आनी वनस्पत

वनस्पतींचे चार घटक धर्मीक कार्यांखातीर वापरतात :

(1) पत्री, (2) पुष्प, (3) फळां, (4) हेर

1. पत्रीपुजा :

जायत्या देवतांक (खासा करून मंगळागौर/पार्वती/गौरी हांका) 16 वा 21 पत्री ओंपतात. त्यो पत्री उपलब्धतायेप्रमाण (थळ आनी काळ) सकयल दिल्ल्या वनस्पतींच्यो आसतात :

1) अशोक, 2) आवळी (धात्री), 3) करवीर (कणेर), 4) कदंब, 5) ब्रह्मी, 6) धत्तूर (धोतस), 7) आपामार्ग (आघाडो), 8) मालती (मधूमालती), 9) भृंगराज (माका), 10) बिल्व (बेल), 11) श्वतदुर्वा, 12) बद्री/बदरि (बोर), 13) शमी, 14) बृहती (डोरली), 15) अर्क (रूई), 16) विष्णूक्रांता (थंड प्रदेशांत), 17) दाडिम (डाळिंब), 18) देवदारू, 19) मरु (मरवा), 20) अश्वत्थ (पिंपळ), 21) जाति (जाई), 22) केतकी (केवडा), 23) अगस्ति (अगस्त), 24) वट (वड), 25) ताड, 26) मुनीपत्र, 27) चंपक (चांफो), 28) नागचंपक, 29) पुन्नाग, 30) जपा, 31) शाका, 32) मल्लिका, 33) शत, 34) पद्म, 35) पारिजातक, 36) सेवंती, 37) निर्गुंडी, 38) करदली, 39) मातुलिंग (मावळींग), 40) कल्हार, 41) नद्यावर्त, 42) नागवल्ली (खावंचें पान), 43) सिंदुवार, 44) ब्रह्मपत्र, 45) कुंद, 46) मंदार, 47) नीलाम्बुज, 48) मरूपर्क, 49) गोकर्ण.

कांय देवदेवतांक अमकीच एक पत्री आवडटा देखीक गणपतीक दुर्वा, शंकराक बेल, विष्णूक तुळशींचें केसर आदी.

पावस सोंपल्याउपरांत जीं व्रतवैकल्यां येतात (चातुर्मासा उपरांत) तातूंत एकतर पत्रीपुजा आसना वा आसल्यारूय तातूंत संख्या उणी आसता (5/11) (यथालाभ). हाचें कारण ह्यावेळार सृष्टींत झाडांक पानां उणीं आसतात.

2. पुष्प पुजा :

कांय देवांचीं तशेंच ग्रहांचीं आवडटीं फुलां आसतात. देखीक गणपतीक तांबडी दशीण, शंकराक धवीं फुलां (तगर बी), विष्णूक कमळ, पार्वती/गौरीक हर्ने...... कांय फुलांचीं नांवांच

देवांचीं, रूशींची वा देवांवयल्यान आयिल्लीं आसात. (अनंत, शंकर, ब्रह्मकमळ, अगस्त, विष्णूकांत, इंद्रिका, गोविंदपुष्प, हरीपुष्प).

पत्रीपुजेभशेन पुष्पपुजा लेगीत थळ आनी काळाचे उपलब्धतायेप्रमाण करतात (पुष्पसंख्या 16,21,108....)

1) चंपक, 2) शत, 3) केतकी, 4) नागचंपक, 5) पुन्नाग, 6) जपा (सूर्यफूल), 7) विष्णूक्रांत, 8) अगस्त (अगस्त), 9) जाति (जाई), 10) करवीर (कणेर), 11) गंधावर्त, 12) मालती, 13) सुरंगी, 14) नीलोत्पल, 15) कर्कटकी (काकडी/तवशें), 16) चंपक, 17) कल्हार, 18) केतकी, 19) बकूल (वोंवळ), 20) पूगपुष्प (सुपारीचें फूल), 21) धत्तूर, 22) पारिजात, 23) नागकेशर, 24) कमल, 25) नंद्यावर्त, 26) गिरिकर्णिका, 27) गोविंदपुष्प, 28) इंद्रिका, 29) मरू, 30) कर्णिका, 31) चूत, 32) दाडिमी, 33) कुमूद, 34) अशोक, 35) ह्लीबेर, 36) युतिका, 37) बदरि, 38) हरीपुष्प (तुळशी), 39) जंबीर, 40) कुंद, 41) मंदार, 42) कदंब, 43) कुरंटक, 44) पाटल, 45) अश्मंतक, 46) देवदारू, 47) पद्म 48) गोकर्ण, 49) सुवर्ण, 50) तगर.

3. धर्मीक कार्यांतलीं फळां :

1) कुष्मांड (कुंवाळो), 2) नारिकेल (नारळ), 3) पनस (पणस), 4) जम्मीर, 5) मातुलिंग (मावळींग), 6) कर्दली, 7) पूगी (सुपारी)

4. हवनीय द्रव्य आनी फळफळावळ/वनस्पती :

1) समिधा, 2) तीळ (काळे/धवे), 3) सवाद, 4) ऊडीद, 5) बेलफळ (वास्तूशांत), 6) आंब्याचीं पानां (जोर आयल्यार आंब्यापानांचोच होम करतात.), 7) चरू (तांदूळ), 8) सांसवां, 9) चंदन/रक्तचंदन, 10) धूप, 11) ऊद, 12) जायफळ, 13) पत्री, 14) वेलची, 15) लवंग, 16) पंचखाद्य (खारीक, खसखस, खिसमीस, (काजी, बदाम), नाल्लाची सोय, खडीसाखर) 17) गवांचें पीठ, 18) नाल्ल, 19) सुपारी, 20) ल्हायो, 21) अमृतवेल, 22) केळें, 23) फोव, 24) ऊस.

5. चातुर्मासांत वर्ज्य वनस्पत/फळां/हेर जिनस :

1) श्रावण - शाकं (भाजी), 2) भाद्रपद - दधी (धंय), 3) आश्विन - दुग्ध (दूद), 4) कार्तिक - द्विदल धान्य

तिथी :

1) प्रतिपदा - कुष्मांड (कुंवाळो), 2) द्वितिया - बृहतीफलं, 3) तृतिया - लवण (मीठ), 4) चतुर्थी - मूलकं (मुळां), 5) पंचमी - पनस (पणस), 6) षष्ठी - तैलं (तेल), 7) सप्तमी - आमलकं, 8) अष्टमी - शीर्षे (नारिकेल) नाल्ल, 9) नवमी - कपालं (दुदी), 10) दशमी - अंत्रं (पडवळ), 11) एकादशी - निष्पावा (पावटे/वाल.....), 12) द्वादशी - मसूरिका (मसूर), 13) त्रयोदशी - वृतांकं, 14) चतुर्दशी - मधु (म्होव), 15) पौर्णिमा - द्यूतं (खेळ), 16) अमावास्या - स्त्रीगमनं.

पार्वतीचीं 21 आंगां :

चवथीवेळार गौरीची पुजा करतना गोंयांत एक खाशेली रीत आसा. म्हादेव हो नाल्लाच्या रूपांत पुजतात, जाल्यार गौरी ही विंगड - विंगड पत्रींनी भरिल्ल्या खोल्याच्या रूपांत. ''गौरी'' तयार करूंक कासाळेच्या पानांचो खोलो बांदतात. त्या खोल्याचो दोणो करून भितर 21 वनस्पतींचीं पानां घालतात. हे क्रियेक गौरीचीं 21 आंगां अशें म्हणटात. पत्री म्हण वापरतात त्या वनस्पतींचीं नांवां स्त्रीलिंगी आसूंक जाय असो संकेत आसा. शंकर, रूमड, अनंत ह्यासारकीं पुल्लिंगीं नांवां आशिल्ली वनस्पत वापरीनात.

21 आंगां अशीं :

1) आबोलीं, 2) शेवंती, 3) गोठलां, 4) तुळशी, 5) दशीण, 6) कणेरी, 7) तवशीण, 8) दोडगीण, 9) चिबडीण, 10) कारायती, 11) तेंडली, 12) काट्टीण, 13) जाई, 14) जुई, 15) सायली, 16) चमेली, 17) चटक-चांदणी, 18) तोरींग, 19) तांबडी भाजी, 20) गोळची भाजी, 21) मोगरी.

(टीप : त्या त्या वाठारांत मेळटात तेप्रमाण पत्री फुलां वापरतात देखून वाठाराप्रमाण तीं बदलतात.)

***

संदर्भावळ

अ.क्र.	पुस्तकाचें नांव	लेखक	प्रकाशकाचें नाव	वर्स
1.	**Flowers of Sahyadri** (इंग्लीश)	Shrikant Ingalhalikar	Corolla Publications, Pune	Nov. 2001
2.	**Tropical Indian Medicinal Plants** (इंग्लीश)	Sumy, Ved & Krishnan	Foundation for Revitalisation of Local Health Tradition, Bangalore	2000
3.	**घरगुती औषधे** (मराठी)	कै. वैद्यतीर्थ कृष्णाजी नारायण उर्फ आप्पाशास्त्री साठे	सौ. शैलजा अनिल साठे आयुर्वेद भवन, गिरगाव, मुंबई	Edition - 13 1994 First Edition 1922
4.	**गुणकारी आहार** (मराठी)	डॉ. हरी कृष्ण बाखरू	रोहन प्रकाशन, पुणे	Reprint 2001
5.	**घरगुती आयुर्वेद** (मराठी)	प.पू. अण्णासाहेब मोरे	श्री स्वामी समर्थ सेवा अध्यात्मिक व सांस्कृतिक केंद्र. जळगाव	1996
6.	**वनौषधी गुणादर्श** (मराठी)	कै. आयुर्वेद महोपाध्याय शंकर दाजीशास्त्री पदे	रमेश विठ्ठल रघुवंशी गजानन बुक डेपो, पुणे	प्रथम आवृत्ती 1893, 1973
7.	**आहार हेच औषध** (मराठी)	माधव चौधरी	नवनीत पब्लिकेशन्स, मुंबई	1997
8.	**ज्योतिर्मय आयुर्वेद** (मराठी)	वैद्य आशुतोष नाडकर्णी	ॐकार प्रकाशन, मुंबई	--
9.	**भारतीय संस्कृति कोश खंड १ व खंड -९** (मराठी)	संपादक पं. महादेव शास्त्री जोशी	भारतीय संस्कृति कोश मंडळ पुणे	First Edition 1976, 1993, 1982
10.	**वनातील वृक्षवेली** (मराठी)	शा. प्र. दीक्षित	कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, पुणे	1997

❊ लेख / विशेषांक ❊

❊ **रानफुले लेवून सजल्या ह्या हिरव्या वाटा** (मराठी) - श्रीकांत वि. जोशी
दै. लोकसत्ता शनिवार, दि. 11 ऑगस्ट, 2001

❊ **श्री गणेश विशेष पुरवणी** (मराठी) दै. गोमन्तक, 1998

❊ **सर्वसमन्वयाचा देव श्री गणेश** (मराठी) - प्रा. दत्ता भि. नाईक,
'ॐकारप्रकाश', सार्वजनिक श्री गणेशोत्सव मंडळ,
केरी-फोंडा गोवा (रौप्यमहोत्सवी स्मरणिका)

❊ 60 **वर्षांपूर्वीचे गोमंतकातील गणेश पूजन** (मराठी) - रमेश विश्राम राणे
दै. गोमन्तक रविवार, दि. 3 सप्टेंबर, 2000

उपकार

श्रावण-भाद्रपदांतलो ताजीटवटवीत सैम

आनी ताचे वांगडाच.....

1. **श्री. अनिल ना. भिवजी**
धारगळ, पेडणे-गोंय
2. **श्री. रमेश विश्राम राणे**
मुरगांव, गोंय
3. **डॉ. एम्. के. जनार्दनम्**
वनस्पतीशास्त्र विभाग, गोंय विद्यापीठ
4. **डॉ. नंदकुमार कामत**
वनस्पतीशास्त्र विभाग, गोंय विद्यापीठ
5. **डॉ. कस्तुरी देसाय**
वनस्पतीशास्त्र विभाग, पी ई एस चें
श्री. रवी सीताराम नाईक महाविद्यालय,
फर्मागुडी-फोंडें-गोंय
6. **डॉ. बर्नाडेट गोमीश**
समाजशास्त्र विभाग,सरकारी
महाविद्यालय, केपें-गोंय
7. **प्रा. बाळ विष्णू आपटे**
निवृत्त प्राध्यापक, फोंडें-गोंय
8. **श्री. संदीप वेरेंकार**
वळवय-फोंडें-गोंय
9. **डॉ. भिवा लाडू मळीक**
रसायनशास्त्र विभाग, पी ई एस चें
श्री. रवी सीताराम नाईक महाविद्यालय,
फर्मागुडी-फोंडें-गोंय
10. **श्री. नामदेव परब**
मालपें-पेडणे-गोंय
11. **श्री. अमरेश तळावलीकार**
तळावली-फोंडें-गोंय
12. **श्री. हनुमंत चोपडेंकार**
कोंकणी विभाग, पार्वतीबाई चौगुले
महाविद्यालय, मडगांव-गोंय
13. **श्री. मंगेश ढवळीकार**
ढवळी-फोंडें-गोंय
14. **श्री. श्याम कोळेकार**
केरी-फोंडें- गोंय
15. **श्री. संजय मुळगांवकार**
गुळेली-सत्तरी-गोंय.
16. **वनस्पतीशास्त्र विभागांतले सगलो प्राध्यापकवर्ग**
पी ई एस चें श्री. रवी सीताराम नाईक
महाविद्यालय, फर्मागुडी-फोंडें-गोंय
17. **डॉ. अनंत देशपांडे**
प्राणीशास्त्र विभाग, पी ई एस चें
श्री. रवी सीताराम नाईक महाविद्यालय,
फर्मागुडी-फोंडें-गोंय
18. **श्री. श्रीपती वैद्य**
पणजी-गोंय
19. **श्री. जगदीश वेरेंकार**
वयलो बाजार, फोंडें-गोंय
20. **श्री. संतोष केरकार**
छायाचित्रकार, फोंडें-गोंय
21. **श्री. दत्ताराम प्रभू**
छायाचित्रकार,
बोरी-फोंडें-गोंय
22. **श्री. अनील अध्यापक**
छायाचित्रकार
प्रियोळ-म्हाड्डोळ-गोंय
23. **डॉ. विली डिसिल्वा**
पणजी-गोंय
24. **श्री. राजेंद्र केरकर**
संस्कृती अभ्यासक
केरी-साखळी-गोंय
25. **श्री. विश्राम गांवकर**
कृषीतज्ञ, फोंडें-गोंय
26. **श्री. कृष्णनाथ अळवणी**
प्रियोळ-म्हाड्डोळ-गोंय
27. **श्री. श्याम वेरेंकार**
मडगांव-गोंय
28. **प्रा. प्रकाश पर्येकार**
कोंकणी विभाग, गोवा विद्यापीठ
ताळगांव-गोंय
29. **श्री. गणेश येसो माजीक**
केरी-साखळी-गोंय
30. **श्री. रामा पांडू माजीक**
केरी-साखळी-गोंय
31. **श्री. विठ्ठल** (नाना) **गांवस केरकार**
केरी-साखळी-गोंय
32. **श्री. बाळकृष्ण** (काका) **च्यारी**
केरी-साखळी-गोंय
33. **श्री. गोविंद कृष्णा गांवस** (गुरूजी)
केरी-साखळी-गोंय
34. **श्री. गोपीनाथ गांवस**
केरी-साखळी-गोंय
35. **श्री. नामदेव गांवस**
केरी-साखळी-गोंय
36. **श्री. सगूण विर्नोडकार**
विर्नोडें-पेडणें-गोंय
37. **श्री. विनय तोटेकार**
प्रियोळ-म्हाड्डोळ-गोंय
38. **श्री. आशुतोष नाडकर्णी**
आयुर्वेदीक वैज,
रायबंदर-पणजी-गोंय
39. **श्री. श्रीरंग जांभळे**
सावय-फोंडे-गोंय
40. **श्री. अरविंद देसाय**
पाळोलें-काणकोण-गोंय
41. **श्री. सत्यवान नायक**
तारीपाटो-सांगें-गोंय
42. **श्री. शंभू खेडेंकार**
सावयवेरें-फोंडें-गोंय
43. **श्री. महेंद्र पेडणेकार**
अन्साभाट-म्हापशे-गोंय
44. **श्री. एल. जे. दिनीज**
मडगांव-गोंय
45. **प्रा. नारायणन**
घोघळ-मडगांव-गोंय
46. **श्री.गोपालकृष्ण गांवकार**
ओपा-खांडेपार-गोंय
47. **श्री. गंगा जानू पालसरकार**
केरी-फोंडे-गोंय
48. **श्री. विशाल शेणवी खांडेपारकार**
आनी खांडेपारकार कुटूंबीय
शिरोडें-फोंडें-गोंय
49. गोंय सरकारन 2005 वर्सा घेतिल्ले माटोळी सजावट सर्तींत वांटेकार जाल्ल्या स्पर्धकांचे माटोळेचीं कांय छायाचित्रां 'कला अकादेमी गोंय'च्या बरेपणान ह्या पुस्तकांत आस्पावल्यांत तातूंत -
    - **श्री. श्रीकांत सतरकार**
    कुर्टी-फोंडें
    - **श्री. पुंडलीक तुकाराम गांवकार**
    खोडयें-सत्तरी
    - **श्री. दीपक गांवकार**
    सात्रें-वाळपय
    - **श्री. सतीश कशाळकार**
    माऊसवाडा, पेडणे
    - **श्री. सचिवत रा. नाईक**
    ताळगांव-गोंय

हांचे माटोळेंचो आस्पाव आसा.

***

भूषण भावे

- 1990 सावन फर्मागुडी-फोंडें गोंय, हांगासरल्या पी ई एस् च्या श्री. रवी सीताराम नाईक महाविद्यालयांत कोंकणी व्याख्यात (सिलेक्शन ग्रेड) आनी विभाग मुखेली म्हण वावर.
- कोंकणी समीक्षक, लेखक म्हण सुपरिचित.
- समीक्षा आनी वेव्हारीक कोंकणी आदी विशयांचेर कांय पुस्तकांचो सहलेखक/पालवी-संपादक
- 'गोंयांतले पारंपारिक खेळ' ह्या पुस्तकाचो संपादक
- विद्यार्थी जीणेसावन गोंयचे विद्यार्थी आनी युवा चळवळींत सक्रीय वांटो. अ.भा.वि.प. च्या माध्यमांतल्यान शिक्षणीक आनी सामाजिक आंदोलनांत नेतृत्त्व.
- गोवा कोंकणी अकादेमीचो उपाध्यक्ष म्हण वावर.
- गोंय विद्यापीठाच्या राष्ट्रीय सेवा येवजणेचो (NSS) कार्यक्रम समन्वयक.
- गोंय विद्यापीठाच्या विधीसभेचो तशेंच गोंय सरकाराच्या संस्कृती-साहित्य-भाषा विशींच्या साबार समितींचो वांगडी म्हण वावर.
- गोंय सरकारान 2005 वर्सा घडोवन हाडिल्ले 'माटोळी सजावट सर्तीचे' आयोजन समितीचेर 'खास निमंत्रित' म्हण वावर.